

फेब्रुवारी १९८५



कुळागर

फेब्रुवारी १९८५

वर्स : सातवें

अंक : २

ह्या अंकाचे मोल : ३ रुपया

वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :
प्रकाश थळी
नारायण वादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :
अनिल पै

छापणावळ :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,
बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन,
पो. बॉ. नं ७८
मडगांव-गोंय-४०३६०१

मांडावळ

सपादकीय / २

वाचप्यांलीं पत्रां / ३

सॉक्रेटिसाचें अंतकाळचें अजरंवर वक्तव्य / बाकीबाब बोरकार / ४

कोंकणी : शुद्धलेखन / प्रमाणीकरण- / सुरेश जयवत बोरकार / ६

शेजान्न / वामन जि. टाकेकार / १०

अेक वांझ अुफेता / अशोक भोंसलो / १३

जय जात्रा / राजू नायक / १७

सुरगां आनी नारंगां / हात शिवशिवतात / गोविंद मुद्रस / २०

खंत / नारायण बोरकार / २३

भुरग्यांलो विभाग :
पांच काणयो / २६

संपादकीय

पांवडो देवंक लागला ?

कोंकणी भास आनी साहित्याच्या वावराक हालीं एक नवो नेट आयला. कोंकणीक आशिल्लो विरोध सोंपला आनी नवे उमेदीचे तरनाट आपल्यो भावना कोंकणीतल्यान उक्तावंक लागल्यात. एके नदरेन कोंकणीक आतां व्हड संखेन सेवक मेळ्ळयात. तांच्यो भावना उदात्त आसात हातूंत दुबाव ना. पुण तांचे सेवेवरवी कोंकणीची गिरेस्तकाय खऱ्यानीच वाडटा ?

कोंकणी साहित्याचो पांवडो देंवत चल्ला अशी एक कागाळी आतां कानार पडूंक लागल्या. नवे भुरगे जें बरयतात तें कोंकणी बरप आशिल्ल्यान सोपेपणी छापून येता. कांय लेखक अ.पली पुस्तकांय उजवाडायतात. पुण तांचे बरप वाचून आपली भूक भागना अशें कांय वाचपी आमकां सांगतात. आमी तरी अशें मानतात कि जे भाशन व्यापारांत गिरायक केन्नाच चुकना, तेचभाशेन साहित्याच्या क्षेत्रांत वाचपी चूक करिना.

कोंकणी वाचपी–विकतें घेवन वाचपी – कितलेआसात. हाचो अदमास आजवेर कोणेंच घेवंक ना. कोंकणी भाशा मंडळाचे जे सर्वकाळ वांगडी आसात, ते सगळे कोंकणीचे वाचक म्हणप समा जावचें ना. पुण तांचो आंकडो लेगीत अजून ६०० चेर पावंक ना. खंयच्याच कोंकणी नेमाळ्याची वर्सुकी पटी भरून वर्गणीदार जाल्ल्यांचो आंकडो हजारां परस चडना. (रोमन आनी कन्नड लिपींतल्या वाचप्यां-विशीं आमकां चडशी खबर ना.) पुण जे लोक नेमाळ्यांचे वर्गणीदार जातात ते आपुण जावन आपखोशयेन जायनात. कोणयतरी तांच्या दारांत वचून तांची वर्गणी घे[illegible] खुबशे दारांत आयिल्ल्या मनशाचे मुरवतीक ला[illegible] दिल्ल्याचे भावनेन ते पैशे दितात. घरांत येव[illegible] तीं नेमाळीं तांतले कितले वाचतांत देवाक खबर !

कोंकणी पुस्तकां मोठ्या प्रमाणांत उजवाडा[illegible] लागल्यांत. पुणून कितलीं पुस्तकां खपतात ? स[illegible] शिक्षणखातें जीं पुस्तकां विकतीं घेता ताजे वयल्या[illegible] प्याचो आंकडो थारावप पिशेपणाचे जातलें. पुण तं[illegible] जमेक धल्लो जाल्यार लेगीत कितल्याशा पुस्तकांच[illegible] आवृत्ती फाटल्या धा वर्सांत सोंपिल्ली आसत ? (त्या आवृत्तीच्यो कितल्यो प्रती काडिल्ल्यो आसत)

कोंकणीच्या मळार घडटा अशें कि; लेखक[illegible] प्रकाशक आनी चळवळ चलोवपी अशे आमी सगळे[illegible] अडेचशें लोक आमच्या भोंवतणची लक्ष्मणरेघ अजू[illegible] पावंक नात. आनी साहित्यिक दर्जो वाडले बगर [illegible] हुपप आमकां जमचें ना.

साहित्याचो दर्जो सिद्ध करपाखातीर आ[illegible] पुस्तकां आसात हें हांव जाणा. दोन चार वर्सांनी[illegible] असलें उंचयल्या पांवड्याचें पुस्तक उजवाडाक ये[illegible] जर कोंकणी वाचप्याक आपली भूक भागोवपाखातीर[illegible] भाशेंतली पुस्तकां वाचची पडलीं जाल्यार कोंकणी[illegible] त्याची उदरगत तिश्टतली.

हाजी जाणविकाय आमचे लेखकांक केन्[illegible] कांय ?

वाचप्यांलीं पत्रां

संपादक ' कुळागर ' हांका.

कुळागरच्या ऑगस्ट / सप्टेंबर ८४ च्या अंकांत श्री. अ. म्हांबरो हाणी म्हजी गजाल केल्या. श्री. म्हांबरो हे दुसऱ्यांची ...ां करपी असो तांचो लौकिक आसा. आता म्हज्या कवितेबद्दल ...जें बरयलां तें खेबाड न्हय असो म्हजो समज आसा. पुण ...बरोबर देखीक ताणी जी म्हजी कविता दिल्या ती जे तरेन ...या तें पळयतकच हेंवुय एक खेबाड काय कितें असो दुबाव ...आतां हें खेबाडकर्म श्री. म्हांबरो हांचे काय संपादकाचें तें ...नकळ. कशेंय आसूं. तो एक उद्देश आसाच ' बदनाम हुअे ...ा हुआ, आखिर नाम तो हुआ.

...ज्या ' रत्नां हार ' संग्रहांतल्यान ती कविता घेतल्या तो ...६ सालांत उजवाडाक आयिल्लो. ताच्यापैलीं ही कविता ...' मासिकाच्या फेब्रु ७४ च्या अंकांत आयिल्ली. म्हांबरो ...तेन्ना ती वाचल्या आसतलीच. म्हज्या सुर्वेच्या कवितांतली ...क. आतां इतल्या वसांनी तिचो कोणाक उगडास जायत अशें ...तपसून चितूक नाशिल्ले.

...कवितेच्या तिसऱ्या कडव्यांत ' आतां एक गजाल खरी ' ...ओळ आसा. मुळांत ती ' आतां हें खरे ' अशी आशिल्ली ...तशीच पुनवेच्या अंकांत छापिल्ली आसा. रत्नाहारांत ती ...बदलली हें हांव नकळ पुण संग्रह प्रसिद्ध जातकच ओळीच्या ...बद्दल संपादप्याकडे हावें नापसंती व्यक्त केली हाची, याद ... जेन्ना कवि स्वताच्या आयुष्यातल्यो घटना सांगता तेन्ना ती ...स्थिती आसता. एकल्यान दुसऱ्याकडसून आयकुन तिसऱ्याक ...ल्ली गजाल न्हय.

...अनान म्हज्याबद्दल ' धर्तरेर रावून धर्तरेर रावतल्यांकडे उलोवपी अशें म्हूंटना तें म्हाका कितपत लागू जाता तें हांव नकळ पुण ताजे इतर कोंकणी मित्रांच्या कुळशीलाकडे कित्याक पटलें ना हाचो माका बोध जालो. हे म्हांबरे हांचे म्हजेर चड उपकार.

म्हज्यो कविता आवडटात अशें म्हाका मुद्दाम मेळून सांगपी जुने जाणते कवि जशे आसात तेचपरी कोण सांगता हाका कविता बरय म्हणून अशे उद्गार म्हज्या एका मित्राकडे काडपी Ivory Tawer पोएट्‌य आसा. त्या पोएटाक उद्देशून म्हजी सकयली कविता (?)

दर खेपेक म्हजी कविता वाचतकच
तो म्हण्टा खंय,
' कविता बरौंक कळना जाल्यार
कोण सांगता हाका,
कविता बरय म्हणून '
हांव म्हण्टा,
' आरे सभाग्या,
म्हाका कविता बरौक कळना.
हें तुका एकदां समजलें मु
जालें तर,
आतां कोण सांगता तुका
म्हजी कविता वाच म्हणून
तुका कवितेंतल्या म्हाका
वाचूंक कळना जाल्यार '

तुमचो
– शंकर परुळकार
३७ कस्टम्स् क्वार्टर्स
आल्तु बेतीं–गोंय.

सॉक्रेटिसाचें अंतकाळचें अजरंबर वक्तव्य

(क्रिस्ता आदीं ४६९–३९९)

अणकार : बाकीबा ब

क्रिस्ता आदीं ३९९ वर्सा नामनेचो तेन्नाचो तत्ववेत्तो सॉक्रेटिस हाका न्यायासनामुखार उबो केलो. ताजेर आरोप केल्ले ते अशे कि तो रुड देवांक मानिना आनी आपणाल्या पाखंडी शिकोवण्यानीं अथेन्सच्या तरणाट्यांक पाडी देख लायता. जुविजांनीं ताका गुन्यांवकारी थारावन जेन्ना ताका मर्णाची ख्यास्त फर्मायली तेन्ना ताणें जें लोकिकवंत भाशण केलें तें सकला दिलां. प्लेटो ह्या ताज्या शिष्याच्या apology म्हळ्ळ्या पुस्तकांतल्यान तें घेतलां.

थोडोच काळ जायना, अथेन्सकारांनो, जे कोण ह्या शाराचो दुर्लौकिक करंक सोदतात ते सॉक्रेटिस ह्या शाण्या सुर्त्या मनशाक तुमी जिवनशीं माल्लो अशें अक्ष तुमच्या माथ्यार फोडटले. हांव शाणो न्हय आसलों तरी तुमची दशा काडूंक सोदपी लोक हांव शाणो हें हड्डुचार हात मारुन सांगतले. म्हणून म्हण्टां कि तुमी जर चार दीस वाट पळेल्ली जाल्यार म्हजें हें मरण आपल्या पायांनीं चलत येत आशिल्लें. कारण तुमी पळेतातच म्हजी आतां जायती पिराय जाल्या आनी म्हगेलें मरण सामकें लागीं पावलां. हें हांव सांगतां तें तुमकां सगळ्यांक न्हय तर ज्याणीं म्हाका मरणाचें सेंतेंस माल्लां तांकांच आनी तांच्या जाळवणदारांकय. अथेन्सकारांनो, तुमचो एकाद्रो समज जाला जायत कि जर तुमचो समज घालप म्हाका योग्य दिसतें आनी तो घालपी युक्तिवाद हांवें केल्लो जाल्यार हांव हे ख्यास्तींतलो सुटुंये आशिल्लों. पुण हे बाबतीतलें सत्य साप्प उरफाटें. म्हाका ख्यास्त पडल्या ती युक्तिवादांच्या उणावाक लागून न्हय तर ज्यों हेरांकडल्यान सदांच आयकुपाची तुमकां संवय जाल्या त्यो विणवण्यो परथण्यो करपाची खिटाय आनी अतिताय करपाक म्हाका मन जालें ना आनी म्हाका सोबल्यो नात अशो जायत्यो गजालीं हांवें सांगल्यो नात म्हणून. तशें हांवें करतें जाल्यार तुमकां तें खूब मानवतलेंय आशिल्लें. पुण हांव निक्षून सांगतां म्हाका ते शक्य नाशिल्लें.

स्वतंत्र नागरिकाक सोबना अशें कितेंच अरिष्ट टाळूंक तेन्ना म्हाका करचेंशें दिसलें ना आनी अशें तरेन हांवें म्हजें मंडण केलें हाजो आतांय म्हाका पच्छताप जायना. तशें भष्ट जावन जियेवचे परस असल्या मंडणान मरप म्हाका जायतें पसंत. कारण निवाडद्याच्या प्रसंगार जावं नाजाल्यार झुजाच्या प्रसंगार जावं हांवें वा अन्य कोणेय जीव वाटावंक हाताक मेळिल्लें कसलेंय साधन वाफरप योग्य न्हय; झुजांत शस्त्रां दवल्लीं आनी आपली फाट घेतल्याच्या पांयार घालून घेतलें जाल्यार मनशाच्यान आपलो जीव वाटांव येता हाजो प्रत्यय आत्याफैंच्यान आयिल्लो दिष्टि पट्टा. मनशाक कितेंय करपाक वा उलवपाक अनमान नासल्यार कसल्य सं
वेळार ताज्यान जीव वाटावंक हेर जायत्यो माग्यो व
अथेन्सकारांनो ! मरण टाळप कठिण न्हय. पुण पाप:प
चो वेग मरणायपरस अदीक तो टाळप मात कितल तरी
आनी आतां हांव मंद आनी म्हातारो जाल्यान ताया
जें अदीक मंद ताज्या सुवादीन जालां पुण म्हज अ
फिर्यादी आसात ते बळिष्ट आनी धडपडी जाल्यान ते
मदलें वेगिष्ट अशें जें नष्टेपण ताज्या सुवादीन ल्यात
सेंतेंस मारिल्ल्यान हांव आतां मरणाकडेन चल्लों ण तां
अधर्म आनी अन्याय हांचे गुन्यांवकार म्हणून स्थानच
मारिल्लें आसा. हाव म्हज्या सेंतेसाक पाळो दितलं आनी
तांच्या सेंतेसाक तो दिवंचो पट्टलो. ह्यो गजाली अशो जा
जावं ये आनी म्हाका दिसता त्यो जाल्यात त्यो बऱ्याच

दुसरें, ज्याणी म्हाका सेंतेस माल्ला त्या तुमक हांव
फुडलें भाकीत सांगूंक सोदतां. कारण मनशां जे म
धडचार पावतात तेन्ना तांकां अशी एक अवस्था च फल
जाता कि जेन्ना तांकां फुडार सांगपाची टांका ये आ
ती तशी म्हाका आयल्या. म्हणून अथेन्सकारांनो ! ज्य तुमी
मर्णाची ख्यास्त फर्मायल्या त्या तुमकां ज्युपिटर
बराबर तुमी म्हाका दिल्लो ख्यास्ती परसय निबर ख्यात भ
तुमकां दिसलां जावंये केल्ल्या कर्माचो झाडो तुमकां विचो
ना. पुण हांव निक्षन सांगतां कि तुमचो समज ाला
बराबर उरफाटें घडपाचें आसा. तुमकां बोल लावांचो
घडचड वाडपाचो आसा ज्यांका आज वेर हांवें थातडन
पुण हे वळखूंक तुमकां दोळे ना जाले. ते जितले दीक
आसतले तितले ते अदीक खर आसतले. आनी तांकां लागू
अदीक खुबळटले. मनशांक जिवेनशीं मारून तुमच्य कुक
उलयतल्यांचे तोंडां तुमी सासणाचीं धापूंक पावत असं
समज आसल्यार तुमी साप्प चुकतात; कारण पळव क
ही पद्धत शक्यतायेंतलीय न्हय आनी सोब-दिणी न्ह
उलयतल्यांक न आडावप ही जी दुसरी तरा ती मात स्प्यांत
आनी भौमानाचीय बी. कारण तिका लागून मानीस सा
येता आनी जास्तींत जास्त निर्दोष जावं येता. मका
लायतल्या तुमकां हें तुमचें भाकीत सांगून हांव आतां तचो
घेतां.

पुण तुमच्यांतल्या ज्याणीं हांव सुटचों म्हण म
तांचेकडेन, न्यायाधिश मंडळी आपल्या कामांत वा अ

हाका वधस्थळार व्हरूंक काडिसर, आतां जें कितें घडलां
दान संतोषान उलवंक सोदतां. तेन्ना तवर थोडे थांबात.
उलवपाची मुभा आशिल्ल्यान मर्दी कसलेच आडमेळें
ना. तुमी म्हजे इश्ट जाल्ल्यान, म्हाका भोगिल्ल्यां त्या घटि-
थितार्थ म्हाका तुमका सांगचेलो आसा. म्हज्या जुविजानो-
तुमकां जुवीज म्हणपांत हांव फाव तेंच म्हण्टां – म्हका घडलातें
तिच घडलां. म्हज्या जिणेंतल्या प्रत्येक प्रसगांर, मागीर तो
य किरकोळ जावं हांव अयोग्य वागूंक वचचाक, म्हजो
–देवता आपणाल्या भविष्य वाणीन म्हाका शिटकायत
त. पुण म्हजेर होजो सध्या प्रसंग आयला आनी जो तुमी
दोळयांनीं पळेला तेन्ना मात, तो पातकाच्या परमावधीचो
सता आसूनय, सकाळीं घरच्यान येतना जावं, निवाडयाच्या
उबो रावताना जावं ना जाल्यार हांव भाशण करताना जावं
न म्हाका आडावंक ना. ह्या उफाट्टें अन्य अनेक प्रसंगांर
तरी फावटो तिणेंच ऐन उलवपाच्या ओघांत म्हका ताळयार
पुण ह्या खटल्याचो आरंब जावन तो सोंपतासर हांवें जें
हांव जें उलयलें तातूंत तिणें कसलेंच आडमेळें हाडलें ना.
जें कारण कितें अशें म्हाका दिसता जायत ? रावात सांगतां.
जें हें अपसरण आयलां ते म्हका तरी वरदानच दिसता. मरण
र स्राप वा ईश्वरी कोप अशें जें कोण आमच्या मर्दी
त आसतात ते चुकतात हें लक्षांत दवरात. म्हाका जें घडलां
ा बऱ्याकच. तशें नासतें जाल्यार म्हजी संवकळेची शिटकावणी
आडायतली आशिल्ली हें म्हजे नदरेन एक व्हडलें प्रोव्ह.

याभायर, ह्या वेल्यान आमच्यानी निष्कर्ष काडूं येता कीं
वरदान जाल्यान तें एक व्हड आस जावंत आसा. मरणाचो
एक अर्थ जावं येता. एक म्हळयार मेल्ल्याचे कांयच उरना
ाका कितेंच जाणवना किंवा, लोकांत म्हणणी आसा त्याप्रमाण
चो पालट घडून मनशाचो आत्मो एकेकडच्यान दुसरेकडेन
नी मरण म्हळयार संवेदनेचो सामको अभाव अशें आसत
ती एक सपन नाशिल्ली गाड न्हीद. तशें आसल्यार मरण
एक अद्भुत लाबच म्हणूंक जाय. म्हूणन म्हाका दिसता
ह्या मनशाक सपनाविरैत हिन्देच्यो जर कांय राती मेळ्ळयो
हेरां रातींपरस त्यो ताजे यादस्तेंत अदीक सोपेपणीं उरतल्यो.
गतां ती ही गजाल सर्वसाधारण मनशाचे बाबतींत जितली
तलीच एकाद्या व्हडा राजाचे बाबतींतय खरी.

ण, हे ऐवजीं, मरण म्हळयार केवळ स्थळांतर ही म्हणणी
ासत जाल्यार आजवेरचे सगले मेल्ले–गेल्ले आपले नवे
नंदतात. तर मागीर म्हगेल्या जुविजांनो ह्या परस देवाचो
कृपा ती कितें आसुं येता ? हांगा जे आपणाक जुवीज
तांच्या हातचो सुटून ह डिसाक पावतकच थंय जेन्ना
, हांगा ज्यांकां प्रतिदेव मानतले अशे मिनॉस, ऱ्हादामांतूस,
आनी त्रिपोलेंमुस आनी तांच्या सारकेले निजाचे जुवीज
तेन्ना ताजें स्थळांतर जालें तें वायट जालें अशें कशें म्हणुं
ऑर्फियस्, आनी मुफेडस् तशेंच हेसियॉड आनी होमर हांचेक-
ी करूंक मेळ्ळयो जाल्यार अशा योगाचें मोल तुमी कितलें
म्हणून करशात ? हें जर खरें जायत जाल्यार खऱ्यानीच भौन भौन
हांव मरण पत्करीन. थंय जर पालामेदिस, तेलामॉनचो चलो
आजेबस आनी तसलोच एकाद्रो अन्यायान मर्णाचें सेंतेंस जाल्लो
वडील म्हाका उलवंक मेळ्ळो जाल्यार म्हाका मोटचा पुण्यतायेची
यात्रा घडली अशें हांव समजन. म्हाका दिसता कि तांच्या यातनां-
कडेन म्हज्या यातनांची तुळणा करून पळोवपाचो वावर इल्ल्यातिल्ल्या
सुखाचो जावचो ना.

पुण थंयचे व्हडांतले व्हड सुख आसतलें तें थंयच्या लोकांकडेन
हांगच्या भशेनच प्रस्न करपांत आनी तांची परीक्षा घेवन तांच्यातलो
खरेलो शाणो कोण आनी शाणो न्हय आसताना स्वताक शाणो
समजता कोण हाजो सोद घेवपांत म्हजो वेळ सारप. म्हज्या जुवि-
जांनो आकांताळी सैन्यां आनी तांच्या वांगडचा हजारांनीं दादले
बायलो ज्यो ट्रॉय वो युलिसिस वा सिसिफुसच्या आड लढल्यो तांच्या
मुखेल्याकडे प्रस्न करपाचे संधीचे मोल कोण कितलें म्हणून करतलो?
त्या सगळयांचो सव्वास मेळप, तांचेकडेन उलवंक मेळप आनी तांका
प्रस्न करूंक मेळप ह्या सुखाची कल्पना पसून करप कठीण. खात्रीन
थंयचे जुवीज हें केल्याबद्दल कोणाक मरणाची ख्यास्त मारिनात- हेर
बाबतींतय थंय रावपी लोक हांगच्या लोकांपरस अदीक सुखी आनी
तांच्या संबंदान सांगतात तें खरें आसत जाल्यार थंय ते अमर.

म्हूणन म्हगेल्या जुविजांनो, मर्णासंबंदान तुमी बऱ्यो आशा
बाळगुंच्यो आनी ह्या एका सत्याचें चिंतन मनन करचें कि बऱ्या
मनशाक तो जितो आसताना जावं वा तो मरतकच जावं कितेंच
वायट म्हूणन नासता आनी जे विषय ताज्या हुस्क्याचे आसतात
तांची देव केन्नाच उपेक्षा करिनात. आनी म्हजेर हो जो प्रसंग
आयला तो केवळ योगायोगाचो परिणाम न्हय, तर आतां मरताना
म्हाका हें स्पश्ट दिसता कि हुस्क्यांतल्या पासांतलो असो हांव सुटप
हें म्हज्या कल्याणाचेंच. म्हूणनच म्हजे शिटकावणेन म्हाका कूस
परतूंक लायली ना. ज्याणी म्हाका सेंतेंस माल्लें किंवा ज्याणी म्हजेर
आरोप केले तांचेर म्हजो कसलोच रागरोश ना. आरोप करतल्यांचो
हेतू म्हाका ख्यास्त भोगवची हो नाशिल्लो. आशिल्लो तो म्हाका
दुखवपाचो. तांकां बोल लागू जाता तो तितल्याचपुरतो.

आतां इतलेंच एक तुमचेकडेन मागतां. म्हज्या जुविजानो,
म्हगेले भुरगे जेन्ना व्हड जातले तेन्ना सद्‌गुणांपरस ते संपत्तीचो चड
जतनाय घेतात अशें दिसलें जाल्यार हांवें जशें तुमकां दुःख दिलें तशें
तुमीय तांकां दुःख दियात आनी ख्यास्त लायात. कसल्याच कामाचे
नासून आमी कोणय पुण आसात अशें स्वताक तें समजले जाल्यार
हांवें जशी तुमची खरड काडल्या तशीच तुमीय तांची काडात. तुमी
अशें केलें जाल्यार म्हाका आनी म्हगेल्या भुरग्यांक तुमच्या हस्तकीं
फाव जाल्ली वर्तणूक मेळ्ळी अशें जातलें.

पुण आतां आमचो आपापलेवाटेन वचपाचो वेळ जालो. म्हजो
मरणाच्या आनी तुमचो जीवनाच्या. पुण आमचेपैकीं कोण अदीक
बरे स्थितीक पावतलो ते कोण नकळ. तें जाणा फक्तच देव.

(हो लेख आमकां श्री. रवीन्द्रबाब केळेकार हांचेकडल्यान
मेळ्ळा. छापयलीं तो खंयच अजवाडा येवंक ना. -संपादक)

▣ ▣

६. अनुस्वार :

अनुस्वार तीन कारणांक लागून आयिल्ले दिश्टी पडटात.

(i) निव्वळ नाकया म्हणून

(ii) ं त लागून सप्तमी जाल्या म्हणून

(iii) अनुनासिकाच्या बदला आयला म्हणून

देखीक :

(i) हांव तूं आमकां

(ii) म्हज्यांत तुज्यांत आमच्यांत

(iii) आंग (आङ्ग); सांज (साञ्ज)
वितंड (वितण्ड) तंत्र (तन्त्र) मुंबय (मुम्बय)

आतां हातूंतल्या खंयच्या अनुस्वारा बदला शून्य घालचें वा चौकोन घालचो ? कित्याक ? आयजमेरेन अशें बरयत आयिल्ले आसतना आनी बरयल्ले वाचीत आयिल्ले आसतना कोणाक कसली आडखळ जाल्ल्याचें कळूंक ना.

७. च, ज आनी झ हांचे सकयल नुकतो :

च, ज, आनी झ ह्या अक्षरांचो अुच्चार च्य, ज्य आनी झ्य असो जाता. हीं अक्षरां ओी अूं आनी ओे स्वरी आसतात तेन्नाच तांचो असो अुच्चार जाता. कांय फावटीं अ आ स्वरी आसतात. तेन्नाय तो तसो जाता.

देखीक : (i) तो चड चलता आनी आपुण चलाख (च्य) दाखयता.

(ii) हचा जड जगांत (ज्यगांत) जाय त्या जाणांक रावन दिसना.

(iii) जीव (ज्यीव) आसा म्हणून कितेंय अुलोवचें न्हय. दुसऱ्या जिवाक (ज्यिवाक) त्रास जाता.

(iii) म्हजें (म्हज्ये) तुजें (तुज्यें) केलें देखून दुख्खाचें (दुख्खाच्यें) वजें (वज्यें) ओडून घेतलें.

(v) आज गांवांत जागर आस तेन्ना तूं, तुजी घरकान्न आनी तुजो चलो अशीं सगळीं जाणां आमगेर येतात.

जेवण खाण करून मजा पळोवंक मागीर आमी मांडार वचचें.

हो परिच्छेद वाचपाक कोणाक कसलो त्रास जाता ! जायना जाल्यार नसते प्रस्न निर्माण करून तांचेर वादावादी करपांत अर्थ ना. पुण जाता जाल्यार मात जरूर विचार करचो पडटलो.

ओी. ‘ कुळागर’ च्या डिसें. ८४ च्या अंकांत ‘ कोंकणी व्याकरण इ ’ नांवाचो लेख आयला. तातूंत शणै गोंयबाबांनी कशें बरयलां आनी आतां कांज जाण कशे बरयतात त दाखोवन दिलां.

एस्. एस्. सी. बोर्डांत जीं पुस्तकां अुजवाडाक हाडल्यांत तातूंत ‘ जे नदरेन ’ अशें मेळटलें. ‘ ज्या नदरेन ’ अशें मेळचें ना. ‘ दुसरे बचनात ’ अशें मेळटलें ‘ दुसरे बचना ’ अशें मेळचें ना. मात ‘ हचा खातीर ’ बरोवचें काय ‘ हे खातीर ’ बरोवचें हो अजून म्हज्या मनांत गोंदळ आसा. हा

अशें :

शणै गोंयबाबांच्या ‘ अैन वेळार ’ हचा लेखांत अु

मेळटात.

क	ख
तांचेकडेन	हचा खातीर
भाशेखातीर	केल्याबगर
बेतुल्लेवरी	हचा पासावत
तारी मेरेन	हचा भायर
हाचे परस	त्या खातीर
हांचे सैत	हचा आदीं
तांचे वैले	

हे भाशेन

क सकयल आशिल्ल्या अुतरांनी अव्यय वा प्रत्यय लाग अुतर ओे कारान्त जाता (आडवाद : तारी मेरेन) ख आशिल्ल्या अुतरांनी तें आ कारान्त जाल्लें दिश्टी पडटा अ कित्याक ? ख. सकयल्ली अुतरां खेरीज पद्धतीची पळोवया.

ताणें जल्मभर कितेंच केलें ना. ह्या खातीर तो दुर्दशें
कित्या खातीर तो दुर्दशेंत

←——————→ ह्या खातीर.

हें

फाटलें सबंद वाक्य ‘ हें ’ ह्या सर्वनामांत येता. हे स रूप ह्या म्हणून ह्या खातीर, त्या खातीर बरोबर दिस क्रियापदांच्या कांय रुपांक वा हेर अुतरांक तीं जोडून येता हीं रुपा ओेकारान्त जाल्लीं दिश्टी पडटात स्वभावानुस ओेकारान्त अशें म्हळें जाल्यार ‘ हे खातीर ’ अशें बरयलें बरोबर जाता काय जाय ना ?

म्हजेखातीर आवयन खूब कश्ट सोंसले.

हे खातीर हांव तिजी सदांच याद काडटां.

म्हजें मत: निव्वळ शास्त्राचे नदरेन ‘ ह्या खातीर ’ दिसता. पुण ओेकंदर हेर अुतरांची चाल पळयली जाल्यार ‘ हे चूक न्हय. आमी ‘ हे खातीर ’ थारावचें अशें म्हाका दिसत बोर्डाच्या पुस्तकांनी आमी ‘ ह्या खातीर ’ घेतलां.

ही ओेकंदर भासाभास केल्या अुपरान्त म्हाका कांय सांगच्यो शो दिसतात त्यो अशो.

१. कोंकणी ही संस्कृत भाशेची धूव. आनी तिजी लिपी दे पुण गेल्ल्या साडेचारशीं वरसां हे लिपीपसून ती अुल्ली आनी परतीय ते लिपींत बसोवपाचें काम श बाबांनी केलें. कोंकणी – पुर्तुगेज शब्दकोश तयार क दालगादानूय प्रयत्न केलो. म्हणून शणै गोंयबाबांची ब ही आमकां अुजवाड दिवपी घणघणीत बरी चूड.

वनागरी लिपींत ही भास शणै गोंयबाबांनी बेस बरी बसल्या. पुण ज्या ज्या जाग्याचेर सोपेंपण आमच्यानी जोडुंता थंय थंय आनी तें जोडपाचो हक आमचेकडेंन राखून वल्ला.

ास बरोवंक आनी वाचूंक सोपी जावप बरी. ह्या खातीर ुरवो अुण्यो आसत तितल्यो बऱ्यो. देखूनच नव्यो नव्यो ुरवो सोडून काडून देवनागरी लिपीचे प्रकृतीकडेन कोंकणी ास हाडून तेंकोवप बरोबर न्हय.

ळपी वाचूंक येता म्हणून भास वाचूंक येता अशें न्हय. रोमन ळपी वाचूंक आयली म्हणून पोर्तुगेज मनशाक अिंग्लेज वाचूंक वची ना. आनी अिंग्लेज मनशाक पोर्तुगेज वाचूंक येवची ा. अेका @ अक्षराचे दोनूय भाशांनी कितलेच अुच्चार ासात. तेन्ना कोंकणी न्हय अशा लोकांक कोंकणी वाचचीशी दसली जाल्यार तांणी कोंकणी शिकची आनी मागीर वाचची. ांकां बऱ्याक पडूंक जाय म्हणून आमी आमची कोंकणी दलपाची गरज ना.

ामचें पयलें काम शाळांखातीर पाठ्यपुस्तकां तयार करप. ंच काम सध्या बोर्ड करता. त्या पुस्तकांनी अेकच शुद्धलेखन ासचें पडटलें : हीं पुस्तकां आधाराक घेवन कोंकणी शिकयल्यांक आनी शिकतल्यांक कसलीच आडखळ जावंक जायना. हाका सांगपाक आनंद दिसता कि बोर्डान केल्ले आठवेचें ुस्तक शिक्षकांक आवडला. खंय खंय चुको आसात पुण सरकट नात. फुडल्या वर्सा णववेचें पुस्तक जातलें तातूंत अेक्कूय ूक अुरची ना अितली जतनाय बोर्ड घेवपाचो आसा.

ुरतलें तें रूप धरतलें. शाळांनी लायिल्लीं हींच पुस्तकां रूप रतली. शुद्धलेखनाचे नदरेन. प्रमाणीकरणाचे नदरेन. तेन्ना ा पुस्तकांनी चुकचीं अुतरां खंयचीं आसात आनी तीं कशी रोवपीं हाजेर जाणकारांनी अवश्य सांगचें.

ास बदलत आसता ही गजाल जरी खरी आसली तरी olling stones gather no moss हे म्हणी माण आमकां दिसता तशी आमी भास बदलीत रावले ाल्यार हे भाशेच्यो वाद्रयो आनी तिस्त्यो जातल्यो. तेन्ना ी बदलपाच्या नादाक कोणेंच लागचें न्हय.

ोंकणी भास अेके नवे अडयेचे तयारेंत आसा तेन्ना बेगोबेग ाणकारांनी अेकठांय येवचें आनी जंय जंय मतां जुळनात ्र थंय भासाभास करून अशों मळां आनी थळां थारावन डोवची नाजाल्यार जाणकार फाटीं पडटले आनी भास डें वतली. ही भास आतां कोणाखातीर थांबूंक येवंक ना हें जरत मतीत आसचें.

सगळी भासाभास करतना खंयचेंय म्हजें अुतर हेवटेन ालां आसत जाल्यार भौ. अुसगांवकारबाब आनी भौ. ्बु हांणी मोटया अुदार मनान म्हाका भगसुचें.



शेजान्न

– वामन जि. टाकेकार

तारखेच्या कोतान ह्या रुमार रावपाक आयल्यार आयज म्हाका सारखो अेक म्हयनो पुराय जाता. हरशी सदच्यासारखो काल सांचोच हांव घरा वचपाचो. पुण पयर तें म्हुणूंक लागलें, चूक जाली, ती म्हुणूंक लागली... ... हय, तें वर्सांनी म्हज्याकूय ल्हान आसत, न्हय ल्हान आसाच. पुण गळयांत पांच-स पोवनाचो चकचकीत मणी आसा. देखून म्हाकातरी ताका 'तें' म्हणपाक बरें दिसना. आता आंकवारपणातली वळख बी आशिल्ली जाल्यार वेगळी गजाल आशिल्ली. तिवूय ना. हांवतरी गळयांत मणी आशिल्ल्या वीसवर्सांच्या लेगीत हिंदु बायलेक 'ती' म्हणटां आनी गळयांत मणी नाशिल्ल्या पन्नास वर्सांच्या लेगीत बायलेक 'तें' म्हणटा. हाका आडवाद फकत घोव मेला तर, पयर ती म्हणपाक लागली– 'शेनवारदीस घरा वचूंनाका आं ?'

'कित्याक ?'– हावें अजापान विचाल्लें.

'आयतारदीस जेवपाक तुकां आमगेर खासा आमंत्रण'– तिणें सांगलें.

'विशेश कितेंतर गे ?'– म्हाका जाणाजावन घेवपाची अुमळशीक.

'ते तुकां ते दीस कळटलें–' हांसत तिणें जाप दिली. हावें वगीच दोन-तीन मिनटां चिंतिल्लेवरी केलें आनी कांयच अुलयनासना 'जायत' अशे तरेन तकली हालयली.

जालेंयजाल्यार घराकडचें पडलां कोणाक? फकत जाण्टी आवय आसा घराकडेन. सदचेभशेन शेनवारदीस सांची म्हजी वाट पळयतली आनी 'आयज म्हजो पूत येवना कसो ?' म्हुण हुस्को करीत न्हिदतली. पुण ती हुस्को करतली म्हुण आयज ही संद चुकयत जाल्यार परती केन्ना मेळत सांगूंनज ! घडये केन्नाच मेळनासतना रावत. वेळ काय कोणाखातीर रावना न्हय ? वेळार वेळ आनी शिगम्यार खळ खेळटा तोच खरो शाणो !

जायतेफावट म्हाका दिसता तिची आनी म्हजी अितली दाट वळख जावपाक आमचें आदल्या जल्माचें कितेंतरी नातें वा अतृप्त अित्सा बी आसा जांवक जाय. नाजाल्यार ह्या अेकाच म्हयन्याभितर अेका तपाची वळख आशिल्लेभशेन ती म्हजेकडेन वागची नाशिल्ली. सांगल्यार कोणाक ? पुराणातलीं वायंगींकशी दिसूं येता. पुण प्रत्यक्षांत म्हज्या जिणेत हें नाटक घडटा म्हणटकूच म्हाकातरी विस्वास दवरूंकच जाय.

ही 'ती' म्हळयार म्हजी अेक शेजान्न. अर्थात हांव ह्या रुमार राबूंक आयलां त्या दिसासावन म्हळयार फकत अेका म्हयन्या पयलीसावन.

हांवें रूम ताब्यांत घेतिलो त्या दि गजाल. सामानसुमान सारे जाग्याक ल जनेलाकडेन अुबो रावून हांव भवत वाठार नियाळटालो. चोंयवींन शेका पातळिल्लें शेत. तातूंत दींच अेक ताचेर धा बारा प्लॉटस् तातुंतल्या रावता ते धरून पांच प्लानी घरां आशिल्लीं, बाकिच्या का प्लॉटानी बांदपाचीं कामां चालू अशिल्लीं तर कांय प्लॉटानी घराक लगता तें सा येवन पडटालें. अशेतरेन गांभायर आशि तें बोडकें मळ अेका नव्या ग्वांची आंगो चडयतालें.

अचकीत आमच्या फुल्यान आशि अेका बंगल्याच्या जनेलार क सोबीत बायल म्हाका बारीक तेळटती दिश्टी प सुरवातीक हांतूंत म्हाका डलेशें अज् दिसलें ना. कारण नवो मनीस ग दिसलो म्हणटकूच कोणूंय आपान पळय पुण चार–पांच मिनटां मलप्यो हा नासतना ती म्हाकांच पळत राविल्ल हांव दुबावलों. तसो हांवडीन सणस आशिल्लोंच. पुण अेक जारी व म्हाका पळयत रावतां हेंम्हाका क दिसलें. पुण ती जर म्हाकापळयता जाल हावें कित्याक तिका पळोवी न्हय ? हावेंय तिचेर नदर थीरली. खऱ्या सुंदर बायल म्हणटा तो शी दिसूंक हें तिका पळोवन थारावचें, अतली तीं सु आशिल्ली. पळयता, पळया ती म्हजे वळख आशिल्लेभशेन हांसल तेन्ना मात चक्रावलों. हावें मेंदवाक गळे तरेचो दिवन आदल्यो – मदल्यो सगळयो दोळयांमुखार हाडून पळल्यो पुण खंयच पळयल्ल्याचो म्हाव कांय अुग जालोना. म्हुण हावूंय जनेलकडच्यानम्हु सल्लों. कारण ता आंकवारखली बी जा

दोळे सुजसर तिका पळयत रावतलों ं. पुण अेक अनोळखी बायलमनशेक, ी कितलीय सोबीत जांव, पयलेच ळ्यांक दोळे लावन घुरकून पळोवपा हांव निखालस निलाजरो न्हय.

जनेलाकडच्यान कुशीक सल्लो खरो. ंत आड रावून तिच्या हालचालींचेर रीक नदर दवल्ली. हांव कुशीक पळोवन ती धांवत भायर आंगणात पुण हांव मात परतो तिका दिश्टी ना. कित्याक न्हय ! परकी गावांत दीस. बरें आसा वायट आसा ! ांड कोणाक जाय ?

ासोच खाटीर आड पडलों. म्होवांच्या मुस हुळहुळटात तशे तिच्या- कितलेशेंच तरेचे विचार म्हज्या नाचूंक लागलें.

आई ?'–– कोणेतरी बायलेन घर मालकिणीक भायल्यान नाजूक लो. भितल्यानें 'ओऽ' दीत ती आयली आनी 'आरे, यो–यो' अशें ंसत तिणे तिका येवकार दिलो.

कोण भाडचाकार आयला काय ?'– आयिल्ल्या व्यक्तीन वासपूस ानी दुसऱ्याच खिणाक येदोळ त्या दिश्टी पडिल्ली ती बायल आमच्या कणी सयत म्हज्या दारामुखार ी रावली. म्हज्या पोटांत पांच- जरतर हे बायलेन म्हजेविशी पुसून दुबाव आमच्या घरमाल- न परगटायत, जाल्यार आयच्या म्हज्या भोंकार खोंट पड्टली, हें ाच खिणाक कळून आयले. हावें मनात आख्खांतान देवाक अेक ल्लो. आनी कितें चमत्कार ! कांयच करिनासतना रुमात अशीऽ अेक र व्हिस्त मारुन तीं गेलीं. हावें चो अेक उस्कार सोडलो.

दीस सहज उलयता उलयता च्या घरमालकिणीकडल्यान तिची ळून काडटात तशी काडली.

अेक नवीच काजारी बायल, सभा- मायेस्त आनी गोड, दोन म्हयन्या- ं लग्न जालां. घोव दुबय आसता, घरांत माय–मांव आनी ती अशीं तिगांच मनशां, दर म्हयन्याक तांका दुबयच्यान दोन हजार रुपया येतात आनी ताचेर तांचो संवसार सुखान चल्ला म्हणपाचें कळ्ळें.'

ही गजाल आयकून म्हज्या मनात तिच्या- विशीं आयिल्ल्या दुबावाचीं पाळां मुळां घट जालीं. पयलेच दीस ती म्हाका तशी कित्याक पळयताली हाचो अिल्लो–अिल्लो अर्थ म्हाका होलमूंक लागलो.

पैशाच्या नेटार कितेंय करूं येता अशें जायत्या पैशेकारांक दिसता. पुण पैशे दिवन मनीस विकतो घेंव येता, ताचें मन न्हय, हें तांका कोण सांगतलो ? हजारांनी रुपया घरा धाडले म्हणटकुच बायल घराकडेन सुखान आस्तली. न्हय आसुकुंय जाय ! अशें दुबयकारांक दिसता जावये. पुण पोटाच्या भुकेबरोबर आनीकूच जायत्यो भुको आस- तात हें ते सोपेपणी विसरतात आनी त्योच भुको जायते फावट अधोगतीक पावयतात.

आपुण कसोय आसुं, आपली बायल मात सामकी सोबीत सुंदर आसुंक जाय ही आमच्या दरयेका तर्नाट्याची अपेक्षा आसता. तिका पळोवन हेरानी आपल्या नशिबाचो दुस्वास करचो अशें लेगीत कायजाणाक दिसता. हातुंत गैर अशें कांयच ना हें म्हाकाय पट्टा. पुण तिका व्यवस्थीत नंदोंवक जाय हातुंत दुबाव आसूंक शकना आमच्या अिति- हासाचे दाखले लेगीत दाखोवन दितात की बायलमनशेक सांबाळची पड्टा ! पुण दुर्दैव हें की कांय तरनाटे हडकून हेंच करिनात. ते करतात तिच्या वांगडा अेकदोन म्हयन्यांचो संसार आनी पैशाच्या आशेक धांवतात भायर. मागीर ती तरी बाबडी सतीसावित्री कशी कशीं रावतली ? अेकवेळ आंकवार चली दादल्याच्या सहवासा विरयत कितलोय तेप आपली लज राखून रावूंक शकता. पुण न्हय काजारी बायल. अेकदा दादल्याच्या घामाची गोडी कळिल्ली खंयचीच बायल – मनीस मनासारखो दुसरो दादलो मेळ्ळो जाल्यार सोपेपणी अलिप्त रावूंक शकना. हातुंत तांचो कांयच गुन्याव ना अशें म्हजें प्रामाणीक मत. कारण हो अेक सैमाचो नेम. चड उण्या प्रमाणांत सगळ्याकुंच लागू आसता म्हळ्यार जाता. मागीर ह्या नेमाक म्हजी शेजान्नतरी कित्याक आडवाद आसची?

बरें, घराकडेनतरी तिका सांबाळपी, जांव तिचेर शेक गाजोवपी असो कोण आसुंक जाय आशिल्लो ? जांटो मांव आनी मांय आसात घराकडेन. तीं बाबडीं सुनेक देक शिकयतलीं काय आपलो जीव सांबाळटलीं ? तातुंत करून आतांतर सगळें रामाचें राज्य ! आतांच्यो सुनो केन्ना कितें करीत हें ब्रह्म- देवाच्या बापायक लेगीत कळुंक कुस्तार. बरें, सुनेक बऱ्या – वायटाच्यो चार गजाली मावांन वा मांयन सांगल्यो आनी फाल्यां सुनेन आपल्या घोवाक चार करून सांगलें, जाल्यार हे जांटेपिरायेर तीं बाबडीं वाऱ्यार पडुंक शकतात. म्हणटकूच ताणीं सगळें पळोवन करून फटेंकामलें जाल्यार अज्याप दिसुंक फावना.

आतां निमणो उल्लो तो हांव. म्हजीतर खंयचेच परिस्थीतींत चूक ना हें हांव हड्डयार हात मारून सांगूक शकतां. तिका कोणाचो- तरी सांगात जाय आशिल्लो. हावें दिला. तोंडाची खाजभागसर तिका कोणतरी उलों- वक जाय आशिल्लो. हांव मेळ्ळों. तोवूय लागच्या लागीं हांव तांगेर केन्नाय गेलोना तीच म्हज्या रूमार येताली. खूब गजाली सांगताली. प्रत्तेक फावट तिच्या दोळ्यांत अेक अतृप्त आस म्हाका स्पस्ट दिसताली. पुण हावें जांवन केन्नाय अतिताय केलीना. कारण हांव जाणा आशिल्लो, केन्नांयतरी तिच्या कडल्यान म्हाका आपोवणें येतलें आनी हांव व्हांवते न्हयेन हात धुवन घेतलो. अशें करप पाप हें म्हाकातरी मान्य ना. उचल्यान अशें करण पुण्य अशेंच हांव समजता. अेका भूकेन कंगाल जाल्ल्या मनशाक वाडप हें निखालस पाप न्हय.

सगले मेळून सांगपाचें कितेंकाय म्हळ्यार तिका लागून, हांव अेका परक्या गावांत आसा अशें म्हाका ह्या म्हयन्याभरयां केन्नाय चुकून लेगीत दिसूंक ना. वयल्यान शेनवारदिस घरा गेल्यार केन्ना काय अेकदा परतो येयनसो दिसता. ती सद्दां सांची आमच्या घरमालकिणीगेर येता आणि 'आई आई' करून तिका चार गजाली सांगता आनी म्हाकांय चार गजाली आयकयता.

वरसांचो आडसाटो तरणाटो अुबो आसलो. निकतीच ताची मिसरूट काळसार जायत येतालो. सामको लांब-रूंद मानाय सो दिसतालो. सद्दां व्यायाम बी करता आसूंये वा खेळगडो बी आसूंये ! ताच्या हड्डुचार फांतोर माल्ल्यार ताका कांयच जायनास-तना फातराचोच पिठो जायत, अितलो तो निबर दिसतालो.

नाजाल्यार म्हजो न्हिदलां तो– मेणाचें बावलेंशें. रोकडेंच लोणीशें कडटा.

ताणें मोटवी पेन्ट आनी टी शर्ट घाल्लें. ताचें रसरसतें जुवानपण हांव तोखेत अुल्लें.

' दिपक ना ?' ताणें विचाल्लें. अवचीत म्हाका पळोवन तो गोंदळलो आसूंये !

' आसा. हांव बायल ताची.'

' तो सद्दां आमचें अर्दशेर दुद घेता.' ताणें बाटली म्हज्या हातांत दिली. ' वतोवन दी.'

भितर वचून धाकल्या तोपांत हांवें दुद ओतलें आनी बाटली हाडून ताचेकडेन दीत सांगलें, ' फाल्याच्यान शेरभर हाड.'

' बरें !'

' आरे, तुजे नांव कितें ?'

' सुरेश.' तो हांसत नदरेआड जालो.

त्या अुपरांत ताचें म्हाका सदांच सकाळचें दर्शन जातालें.

हांगसर रावूंक आयल्यार वर्स कशें सल्लें तें कळळेंच ना. अितले मजगतीं,– घोवान कोणाचो तरी फावोर लायलो आनी म्हाका शिक्षिकेची मुळावे शाळेंत नोकरी मेळळी. मॅट्रीक पास जावन हांवें कारवाराक टिचर्स ट्रेनींग कोर्स पुरो केल्लो. घरांत तर हांव बेकार आसतालें. आतां शाळेंत भुरग्यावांगडा मन रमतलें आसलें. संवसाराकूय चार पयशांचो हातभार लागतलो आसलो. म्हाका खूप अुमेद जाली. शाळाय लागींच मेरशे मेळळी.

तो म्हणूंक लागलो–बिराड मेरशेच पळोवया. आपल्याक ऑफिसांतल्यान हांगसर येवंक जितलो वेळ लागता तितलोच थंयच्यान लागतलो. त्याच्या ऑफिसांतल्या अिश्टाचे वळखीन शाळेलागींच सवायशें बिराड मेळळें. जागोय व्हड, सगल्यो सोयी घरांतूच. म्हणटकच रोकडेंच हें बिराड सोडून आमी मेरशे रावूंक गेलीं.

आमी मेरशे गेल्ल्यान अेक शेर दुद घेवन सुरेश अितल्या पयस सकाळफुडें कसो येत ? ना ! केन्ना-केन्नाय सकाळची ताची म्हाका याद येताली. ताचो चेरो दोळ्यामुखार रावतालो. घडये ताकाय आमची याद येता आसतली कांय ?

दीस अुमेदीन धुकल्ले. नोकरेक लागल्यार अेक-दोन न्हय, पांच वर्सां जालीं. दोगांयचे जोडीन संवसार बरो जाग्यार पडलो. घरांत पंखो, गेस, जेलेर बी आयलो. काणकोणचें घरूय आमी शिमेंन्टान बांदून काडलें.

मात मनांत अेकूच खंत आसली. लग्न जावन स वरसां जालीं तरी अजून म्हजो कूस भरलीना. खूप अुपाय केले [illegible] तरी कूस अुजलीना. आवय जावचेलें सपन, सपनूच [illegible] मनांक खूप दुख जातालें. पुण बीच धड ना जाल्यार कितलें [illegible] पोलाचें पोलूच जातालें !

त्यावटेन मांय-माव देव-देवसपणां करतालीं. [illegible] गेर वचून नड-झड पळयतालीं. अुपास-तापास करतलीं. [illegible] कर म्हूण सांगतालीं. पुण ती मानता ते अंध श्रद्धेचेर [illegible] नासलो. पाशाणाक पाकळी लावन भुरगीं जाल्लीं जाल्यार [illegible] कसली गरज ?

सुटयेचीं घरा वतकच माय आणे मारताली [illegible] ' मुने, आमचे दोळे धापच्या पयलीं आमकां नातवाचें [illegible]

तेन्ना मनांत येतालें, तिका सांगचें,– हें तूं [illegible] कित्याक सांगीना ?

अेके खेपे तर मांयन खूप अती केलें. हांव [illegible] आसलें वसऱ्यार मांय आनी अेक शेजान्न अुलयताली. [illegible] म्हूण पयलीं कळिल्लें जाल्यार सून म्हूण ताका घरूच [illegible] नासलीं.'

हीं मांयची अुतरां कानार पडटांच तांचे [illegible] काळजाक तोपले. गजाल तर खरी ! मनांत आयिल्लो [illegible] गिळलो. पुरवानासून रातची ही खबर ताका सांगली.

' हांव कितें करूं ? ' तो फुतफुतलो.

' म्हणजे ? हाचो अर्थ ? '

' हांव कितें करूं ? ' ताची तिच पिरगण.

' म्हाका जाय ते हांव करतलें.'

' तुकां कोणें आडायलां ?'

' बरें आसा. ' ताका फाट करून हांव न्हीदलें

मन अस्वस्त जालें जेवण-खाण रूचनासलें [illegible] लागना जालें. भुरग्यांक शिकयल्यार शिकवप ना [illegible] खेळूंक सोडप. म्हज्या विचारांत हांव गुल्ल. कट्टूलावेल[illegible] शिक्को कसो वतलो ? ताचेकडेन तर जायना... मा[illegible]

अेक दीस सांजवेळच्या सुमार चारांक शारांत वच[illegible] वाट पळयत हांव बस थांब्यार अुबे रावलां अितल्या[illegible] म्हज्या मुखार अुबी रावली.

' वळखता ? जीप चलयतल्यान विचाल्लें. हांव [illegible] गोंदळलें. कोण कांय हो, असो मनांक प्रश्न पडलो. पु[illegible] याद आयली, ' आरे, तूं सुरेश न्हय ?'

' हय. '

' खूप जाणटो दिसता !' तो फकत हांसलो. [illegible] वरसांक हांवें ताका पळोवंनासलो.

' येता ?' ताणें विचाल्लें.

' हय. बाजारांत वतां हांव !' बेग-बेगीन फुड[illegible] ताजेकुशीक हांव बसलें. ताणें शाराचे दिकेन जीप सोडल[illegible]

' कितें करता तूं ?'

सुपरव्हायजर म्हूण हांगसर काम करतां. जीपूय चलयतां.
पायपां घालपाचे काम घेतलां आमचे कंपनीन. '
आनी दुदाचो धन्दो ?'
आसा. घरचीं पळयतात. '
यो मरे आमगेर अेकदीस च्याक, '
येवया. '.तो हांसलो.
आतां तुवें जीप थांबयल्ली, तेंच घर. '
येवया. पायप लायन घालून जायसर आसां हांव हांगसर. '
फाल्यां येता ?' हांवें सट्‌करून विचाल्लें.
फाल्यां ?'
हय. हांव मुद्दाम रावतां घरा. धा जातकच यो. '
बरें, पळोवया. '
पळोवया न्हय, योच. म्हज्या हातची च्या तरी घे. '
मारतां पासय. '
ायल्यो – पयल्यो गजाली करतां म्हणसर बाजार पावलो.
मोवन ताणें म्हाका देंवयलें आनी तो आपल्या कामाक फुडें

सरे दीस शाळा चुकोवन हांव घरा रावलें. ताणें विचाल्लें,
वचना. '
ना. तकली दुखता. ' हांवें ताका फोट माल्लो.
ावणे धांक तो आपल्या ऑफिसाक गेलो. अेक हुस्को मेकळो
सुरेशाचे वाटेक दोळे लावन हांव दारांत अुबे रावलें.
ानी सुरेश चलत आयलो. जीप नासली. म्हजे मन अुमेदीन
डये अित्सेक फळ धरत. हांवें ताका हांसत येवकार दिलो.
हरून ताका बसयलो.
हांव अुतराक केन्नाच फाल्स जावपी न्हय. येता म्हणजे

आनी हांव घरा रावता म्हणजे रावतां ! '
ोगांय खळखळून हांसली.
कितें घेता ? बियर ? '
ना. हांव दुद घेवपी. '
फ्रिजांत झेलाद आसा. '
नाका. च्या घेन ! '
बरें तर. '
ांवें खाणाची बशी हाडून ताच्या मुखार दवल्ली. च्या
मात्शी ग्यासार दवल्ली आनी दोन कपानी घालून हाडली.
का तेंकून सोफार बसलें. अेक हात अचळय ताचे मांडयेर
ताका चर्र ऽऽ जालें जावंक जाय.
हें कितें ? ' ताणें अज्यापान विचाल्लें.
म्हाका जाय ! ' ताच्या खांदार हांवें मान लकयली.
पुण ... ! '
वें आनीक वेळ केलो ना. ताका घेवन हांव बाज्जीर पडलें.
वेंच सोडयलें. बाबड्याक खंय कितें पासून खंबर नासलें.
कयलो. दोनदां जालें. हांव तृप्त जालें, बऱ्यावेळान तो

' आनीक केन्ना ? ' अुमळशीकेन हांवें विचाल्लें.
' तूवें आपयल्यार ! '
' बुधवारा यो.'
' यवंचेच पडलें.' सुरेश मुमुरख्यां हांसत गेलो आनी हांव येन्नाधरून बुधवार अुदेवंची वाट पळोवंक लागलें. अेक-अेक खीण मेजपाक लागलें.

बुधवार अुदेलो. तो कामाक गेलो. हांवें सुटी घेतिल्ली. जेवणा खाणाचो बेत पयलींच नेटान आखलो. आदले दीस कोंबयेचे मांस बी हाडून हांवें जेलेरांत दवरिल्लें. सकाळफुडेंच कामाक लागलें. मचमचीत शाकोती केली. बेग-बेगीन सगले आटपीलें. साडेअकरांक सुरेश दारांत हजर. अेकवर जायसर मात्शी येसाय मारून अेक प्रवेश केलो. घोव येवंचो जाला म्हूण सुरेश वता म्हणूंक लागलो. हांवें ताका आडायलो. जेवन वचचेलो आग्रो केलो. ताच्याच खातीर तर अितल्या नेटान जेवणाची तयारी केल्या.

सुरेशाक हांवें न्हिदचेलेच कुडींन आड पड म्हूण सांगलो. दार मात्शें आड केलें.

–– फुडें किते जाता तें हांव पळयतालें.

घोव आयलो. सदचे भशेन बेग–बेगीन जेवलो. सिगार पेटयले. सायकलीर बसलो आनी गेलो आपल्या कामाक. खंयचे कडेन कांय ना. न्हिदचेले कुडींत ताणे नदरपासून माल्लीना. ताका दनपारचो वेळ तरी खंय मेळटा ? तो धड दोन अुतरां अुलयना म्हजेकडेन !

घडये तो भितर वचून, सुरेशाक पळोवन म्हाका कितेंय विचारिल्लें जाल्यार सरळ सांगतलें आसलें,–तुजेकडेन जायना तें मेळोवचेलो येत्न करतां !

आमी जेवल्या अुपरांत सांजेची पांच मेरेन आनीक दोनदां... दोन प्रवेश पुरे केले.

अशेंच केन्ना–केन्ना हांव सुरेशाक आपोवंक लागलें. केन्ना सकाळचो तर केन्ना सांजेचो. तो येतालो, पावस कसो झट्टालो, वतालो. म्हजो म्हयनो भरत आयलो. बेठोच भय दिसपाक लागलो. आंगार जाल्यार अितली खटपट केल्या ती फुकट. मनांत नासतना मेळत त्या देवाक हांव आर्गां ओपूंक लागलें.

आनी अेकदांचो म्हयनो फुडें धुकल्लो. जीव सस्त जालो. पुण फुडल्या म्हयन्यांत भय आसलो. सगळें घळघळें जाल्यार ? पुण ना. दुसरोय म्हयनो वाटावलो. कावळो आफुडलोना. अेक सपन पुराय जांवचेल्या मारगार आसलें.

' म्हाका दीस गेले ! ' हांवें लज-लजत दिपकाक सांगलें

' कितें ? ' अज्याप आनी अुमेद ताच्या तोंडावळीर भुदेली.

' हय. ' हांवें मान हलयली.

म्हज्यापरस ताका चड खोस जाली. ताणें म्हाका वेंग माल्ली आनी भेंडाक धरून ल्हान भुरग्याभशेन वयर अुखल्लें. नाचयलें. ताचो सगलोच बोबाळ. ताची पावलां जमनीर पडनासतना वाऱ्यार पडपाक लागलीं.

ागवन दवल्ला.

तशे पळेवंक गेल्यार जात्रो म्हळ्यार ऐतिहासिक नाटकाच. आमची पोन्नी तियात्राच म्हळ्यार जात्रा. लोकांखेळा भाशेनूच हे ल्हान ल्हान पंगड गांवागांवानी भोंवतात. म्हळ्यार टूरींग नाटकाची थिएटराच. नाटकांक ते 'पाला' म्हण्टात. चडशी नाटका पुराणाचेरूच. म्हळ्यार महाभारत आनीक रामायणाचेरूच आदारित. फुडे या नाटकांची इतली उदरगत जाली की संसारातली एक नामनेची माची म्हणून बंगालच्या जात्रांची तोखणाय जावक लागली. ताचीच ही कथा

० ० ०

अंदाजे १९५० सालात बंगाली सिनेमा आंग धरूक लागलो तशे या जात्रांचे दिस भल्ले अशी चिन्ना दिसूक लागली. ते पळवन १९६० सालात शोभाबजार हांगाच्या राजबारी हांगा एक जात्रा महोत्सव आनीक परिषद घडवन हाडची पडली. जात्रांच्या जिवितातले हे एक मोठे वळण थल्ले. नामनेच्या विचारवंतानी जात्रांनी नवो प्राण घालपाची आवश्यकता परगटायली. काय जाण्टेलो लोक पोन्न्याक घट्ट धरुन बशील्ले. पुण उदरगतवाद्यांनी तांका मात्तूय थारो दिलोना आनीक पोन्नो माटोव मोडून उडयलो. तरनाटयांनी जात्रांची नवी गुडी उबाल्ली आनीक त्या घटमुट पायार नवी जात्रा उबी रावली.

'पाला' नावाची ही जी पोरनी नाटका जाताली ती एक तर स ते सात वरांची आसताली. रातची सुरु जावन फातोडे मेरेन चलपी. आनीक पळवपी प्रेक्षक आनीक कलाकार या दोघांयचोय ती अंत पळैताली. नव्यो गरजो लक्षात घेवन ल्हानशीच—चडान चड तीन वरांची नाटका माचयेर येवक लागली. लोकांकूय ती मानवंक लागली. म्हण्टकीच तेच तेच विषयाभोवतणी घुवपी नाटका आता नव्यो वाटो सोदूक लागली. पुराणातली वस्त्रा तांणी काडून उडयली आनीक सद्य परिस्थितीचेर सामाजिक आनीक राजकीय विशयावेली नाटका तयार जावक लागली. लोकांनी तर त्या वेळार ह्यो जात्रा सामक्यो तकलेर घेतल्यो. (आमचे तियात्रानी जायते तांत्रुकी बदल जाले. पुण वैचारिक क्रांती जालीच ना. एम्. बॉयर सारखेल्यानी काय सामाजिक राजकीय विषय घेतले पुण लोकांची दिशाभुलच केली. लोककला आनीक लोकांचे संस्कृतीयक येवकार दिवपाची आयज गरज आसा. ही कला लोकांच्या जिविताबद्दल लोकांमदी विज्ञानाचे आनीक सृजनात्मक विचार पातळायता; आनीक अंदश्रद्धा, रुढी, मोटवी नदर पैस करता. लोकांक सामाजिक आनीक आर्थीक परिस्थितीची जाणविकाय करून दिवप, लोकांक एकठांय येवपाक उर्बा दिवपी कला हीच आयची खरी कला. स्वातंत्र्यतायेची इत्सा बाळगुवपी आनी ताजेखातीर वेळ पडल्यार संघर्ष करात म्हणून सांगपी ती खरी कला. ही सांस्कृतिक चळवळ गोंयची तियात्रा केन्ना आपणायतली ?)

पेट्रोमासींच्या अुजवाडान चलपी जात्रा—पुण आता लायट येतकीर जात्रांचे तोणूच बदलले. मायक, स्टेजीवेल्यो लायटी, टेपरेकॉर्डर आनीक फ्लडस्, डीमर, हेवूंय जात्रांचे एक आंग जाले या क्षेत्रात खुपूच फुडे आशिल्ले 'तरुण ऑपेरा' पंगडान तर आपणालो पुराय भेसूच बदललो. तांचे पयले 'हिटलर' या 'पालात' तांणी अुजवाड आनीक आवाजाचे येवजणेचो बऱ्यात बरो अुपयोग केलो. तो 'पाला' शारातले प्रेक्षकांमदीसुद्धा सामको 'सुपर हिट' थल्लो. आनीक तातुंतलो हिरो शांती गोपाळ हाका तर लोक सुपर स्टार म्हणून वळखूक लागले. लेनिन, मार्क्स, सुभाशचंद्र बोस आनीक विवेकानंद हीय ताजी सवंगा फुडे खुपुच गाजली. हळुहळु पेट्रोमासीच्या बदल्यात फ्लड लायटी, स्पॉट आनीक मिरर आयले. आता काय पैसुल्ल्या गावानी काय नामनेचे पंगड, आपणाली खासा अुजवाडा येवजण वापरना जाल्यार नाटक पेडुयार जातले, हे भयान जनरेटर वापरतात.

आनीक एक म्हत्वाची घडणुक जाली ती म्हळचार पयली, जात्रा पळवक चारूय वठेन लोक बसताले. आता तांणी एक अर्द पड्डो लावन बंद केले. आनीक या पड्डुयार ते स्लायडी वा वातावरण निर्मिती करूंक अुजवाडाचे फोकस मारूंक उप लागले. नाटकातले तंत्रज्ञाकूय आ फाटल्यान 'लिपूक' सुवात मेळ वांगडाच फायलीय आयल्यो. प राजवाड्यान वेतना वा अयोध्या एकाच रस्त्याचो उपयोग करचो फायलीक लागून खंयच्यान प्र आनीक खंयच्यान भायर सरप लागले.

मायक नासतना कलाकारांक किळाटचो मारच्यो पड. ता अभिनयावेलेय लक्ष उड. पुण आ येतकीर सगळे सोपे जाले. पयलीं संवाद सगळे लोकांमेरेन पावव काळजी घेतालो आता संवाद चड करपाचे दिकेने तो विचार करूक

संगीत हो या जात्रांचो टेपरिकॉर्डीवेले तशे काय खाशेले सोडले जाल्यार बाकीचे संगीत आसता. जात्रा नमनानूच सुरू 'प्ले बॅक' गावपाचो वापर जात्रांनी जायना. ताकालागून क गावपाक येवप म्हत्वाचे ठरता. (जात्रांनी पदा ना म्हळचार किते ! पारंपारिक जात्रांनी आमचे तियात्रा दोन प्रवेशामदीं एकलो कोणतरी वा नाच करून दाखयी. लोकांक चलपी नाटकांचो वाज येंव नये हाचो वापर जातालो. पुण आता जवळजवळ बंदुच जाल्या. प्रत्येक प्रवे फुडल्या प्रवेशाचो सार पदारूपान पद्धतूय आता फाटी पडल्या.

पश्चिम बंगालात अंदाजे ऑगस जात्रांचो हंगाम सुरू जाता. आनीक वा पुजेचे दिस लागी पावतात जात्रांचेर भार येवक लागता. दिसांनी या काय पंगडांक सुमार ४ भितर दोन तीन गावानी दोन प्रयोग सहज करचे पडटात. काय वस फामाद पुण मात्सी उपेक्षित आशि जात्रा आता पुर्ण ताकदीचो असो उद्योग जाला. ज्याचे वार्षिक उत्पन्न केन्ना १५ ते २० कोटी परस च

कलकत्ता हांगा जात्रांचे ५० वैर आसात. रविंद्र सरानी (पयलीचो र रोड) आता 'जात्रा रोड' जाला. कंपनीची चडशी ऑफीसा आता आसात.

जात्रांनी आयज जी पैशांची न्हंय ा तिका लागून मोठे मोठे लोक आता कडेन आकर्षित जावक लागल्यात. त्याच ा बंगाली फिल्म इंडस्ट्रीकूय 'पिडा' यान कितलेशेच नट आता टोलीगुंगच्यान हांगा येवक लागल्यात. नामनेचो नट चौधरी हे हालीच जात्रांकडेन आयील्ले मोठे व्यक्तीमत्व. सुप्रीया देवी– ही क एक बंगाली सिनेमातली नटी जी जात्रांनी 'राणी' म्हुण वावुरता. नी तिजी जोड सगळयात चड अशे ात. अजितेश बंदोपाध्याय हो आनीक ो नाटक आनीक सिनेमातलो कलाकार. ी जात्रेतली नामना ताका ताजे ायात चड उपकारा पडली. ताचो ज, ताचो हासो आनीक ताचे व्यक्तीमत्व लोकांक भुल घाली आनीक ताजे चेर तिकेटी खपूक लागल्यो. ताजो हासो फामाद की तो स्टेजीर आयलो की ताका हासूक लायताले. एक एकदा तर प्रवेशाकूय लोकांनी हासपाची मागणी ान ताची पंचाईत जाताली. उत्पल अनुप कुमार, विभाश चक्रवर्ती, ज्ञानेश र्ी – आनीक मंजू डे हेय आज जात्रेच्या मातल्यान लोकांच्या काळजांनी ात.

ात्रेच्या उदरगतीक फकत कलाकारूच तर बाकीच्या खुपजाणांचो हातभार ा. तपास सेन– ज्याका बंगालातले नवे चयेचो अुजवाडा येवजणेचो जनक म्हुण तात– आता जात्रांनी अुजवाड फांकता. डे, हेमंत मुखर्जी, शामल मित्रा हाणीं– नवे बंगाली संगीतातले श्रेष्ठी म्हूणन तात– आपली विधायक बुद्धी जात्रांक ा शाणु लहरी सारखो कलाकार जात्रेतल्या वेशभूशेचे आंग सामाळटा. ातीर नाटकां बरवप्यांमदीं आयज दत्त आनीक भैरव गांगुली हे सामके आसात. गांगुली हांची तर सगळीच हिट जाल्यान जात्रेतले 'सलीम जावेद' अशे तांका लोक म्हण्टात.

बंगालच्या नवे वर्सां दिसा जात्रेचे पंगड कलाकारांचे कॉन्ट्रेक्ट सायन करतात. फुट-बॉलच्या खेळात जशे 'ट्रान्फरीच्या' वेळार बरे खेळगडी खंयचो पंगड व्हरता ताचेविशीं लोकांक उत्सुकता आसता तशीच उत्सुकता बरे बरे नट खयचो पार्टी 'उखलता' ताचे-विशीं लागील्ली आसता. जितली चड पैशे दिवपाची ताक, तितले चड बरे नट. या वेळार सगळ बरे वायट मार्गाचो अवलंब जाता. भास्कर रावान आपणाले आमदार फारावचे न्हय देखून रामरावान तांका जशे कर्नाटकात व्हरुन दवरील्ले तशेच विरोधी गटाच्या कारवायांक बळी पडचें न्हय देखून या काळात हिरोईनींक लिपोवन लेगीत दवरचें पडटा.

जात्रांनी त्रास आसलो तरी आता भरपूर पैशे मेळूक लागल्यात देखून हे त्रास आता चड दिसनात. पयलींच्या कोतान जात्रेचे आताचे जीणं खुपूच सुदाल्ला. हिरो-हिरो-ईनीक सगळे तऱ्हेची सुखा मेळटात. तांका गाडयो मेळटात. खासा जेवणाची आनीक रावपाची व्यवस्था जाता समजा एखादया नटाक चायनीस खावपाची हुक्की आयल्यार ताका चायनीस जेवण येता. ताच्यो येसायी बागबजार हांगा जातात. तो गरीयाहाट हांगा रावता आनीक पार्क स्ट्रीटावेल्यान ताका जेवण येता... म्हणजे मुंबैचे फिल्म इंडस्ट्रीन हिरो–हिरोईनी जी कवना करतात ती सगळी हांगाय जातात.

बाकीचो पंगड बसीनी भोवता. सिनेमातले भाशेनुच हांगा ए ग्रेड नटाक वेगळी आनीक एक्सट्रांक वेगळे भाशेनची वागणुक मेळटा.

नटांचो पगार आनीक जात्रेचो बाकीचो खर्च पेलप तशे सोपे नासता ताका लागुनूच जात्रेक मोठे प्रमाणार प्रेक्षक ओडचो पडटा. एका जात्रेक सर्वसाधारण १० ते १५ हजार प्रेक्षक जमयतात. आनीक नट्टा कंपनीसारखे काय पंगड आसल्यार ४० हजारावैर गर्दी जाता. नट्टा कंपनीचे एका नाटकाक दोन वेळा लायट गेली. तेन्ना मोठो बोवाळ जालो. पोलीस आसतनाय मारामारी जाली. तातूंत एकलो मेलो तर कितलेशेच जाण जखमी जाले.

माखन नट्टा हांची ही कंपनी आयज जात्रेच्या संसारातली सगळयात व्हड कंपनी अशे म्हण्टात. ते एका सिजनाक दोन नाटकां बसयतात. एक पुराणाचेर तर दुसरे सामाजिक विशयावेले. सर्वसाधारणपणान ताचे नाटकांक २५ ते ३० हजार लोक येतात. तांच्यो तिकिटोय बाकाच्यापरस चड आसतात आनीक पोलीस फोर्सूय चड दवरचो पडटा. आनीकूय काय पंगडांनी नामना जोडल्या तातूंत अग्रगामी, लोकनाट्य, नवो प्रवास, सिलपतिर्थ, आर्य, जनता आनीक भंडारी ऑपेरा हांचो आस्पाव जाता.

जात्रांनी आता बायलो काम करुक लागील्ल्यान एक वेगळे म्हत्व आयला. जात्रेत त्यो रग हाडटातूच पुण गावातल्या संथ आनीक अळणो जिवितात त्यो जोशूय हाडटात. एक फामाद नटी गावच्या माचयेर नाटक करता ते पळवन लोकूय धादोशी जातात. तातुत श्रद्धा आनीक मोगूय दिसता तारा राणी पाल (नट्ट कंपनी) नावाचे एका नटयेचो अणभवूय सांगपासारको. ती चडशी देवतांचोच पार्ट करता. मागीर नाटक सोपतकीर तिका पाया पडूक खंय मोठी लायन लागता. गावचे लोकांचो मोग कलाकारांक पालव तर दिताच पुण अदिक बरे काम करुक स्फूर्त दिता.

हो पालव गोंयकार आमचे कोंकणी नाट-कांक केन्ना दितले ? एखादे कोंकणी नाटक बसयले जाल्यार ताचे पाच प्रयोग जाता म्हणसर नाका जाता. नाटकाखातीर गोंया-लागसारचे कोंकणी प्रदेशात वचपाची सुच-वणी तशी वायट न्हय; पुण ताचेपयलीं आमचे तियात्र मोग्यांक आपणायल्यार कशे? सामाजिक प्रस्न घेवन ताका वाचा फोडपी नाटकांकूच लोकांच्या काळजांनी सुवात आसता. आमचो समाज खूबशो नव्यो गजाली स्वीकारपाक पयलीं तयार नासता. नव्या विचाराक, संशोधनातल्यान आयिल्ल्या विचारांचो प्रचार करपाचे साधन म्हूणन आमी आता तियात्रांकडेन पळवंक जाय. त्या खातीर जात्रांचो आदर्श दोळ्यामुखार दवर-ल्यार कसो ?

▣ ▣

सुरंगां आनी नारंगां

हात शिंवशिंवतात

— गोविंद मुद्रस

कुळागराचो अंक हातान पडलो म्हण्टकूच पयल्या धपक्याक जीव धादोशी जावन वेता. कारण हो अंक म्हळयार आमच्या सारक्या गोंयाभायर रावणाऱ्या लोकांक गोंयाकडे जोडणारो धागो. पुण रातची तो अंक हातात घेवन वाचूक लागलो म्हण्टकूच निर्शेणी पदराक येता. चड करून तातल्यो त्यो काणयो आणि हेर ललित बरप वाचतकूच मोलीयेराच्या नाटकाची याद येवंक लागता ताच्या एका नाटकांतले एक सवंग दुसऱ्याक सांगता, 'गदच म्हळयार किर्ते !' जें कवित न्ही ते गदच आणि जे गदच न्ही ते कवित !' हाचे वयर दुसरे पात्र मुरगटून म्हण्टा, 'जें हांव किर्ते आता उलयतां तें गदच तर !' कुळागरांत बरोवपी कांय बरपी, (चड करून बायलां बरपी) अशे मेळतात कि जशी दोतोराची बायल दोतोरकी शिकनास्तना दोतोरीण जाता, तशी बरप्याची बायलय बरोंवक येनास्तना बरपाण जाता. बरपाचो कस कित्याक देंवता वा चडटा हाजो सोद घेवपाचो हो जागो न्हय, पुण हे सकयल्या पांवड्याचे बरप वाचून म्हजे हात शिवशिवूक लागता. तिडकीबरोबर हांव पेन घेतां आनी वयल्या पांवड्याच्ये बरप करप ह्या तेमाक पेटून बरोवपाक बसतां.

पुण बरोवंक बसल्या बरोबर लक्षांत यो कि बरोवप [illegible] गजाल न्हो. म्हाका मागीर भुरगेपणांतली एक्याद येता. आ[illegible] ताले त्या वाड्यार दर वर्सा नाटकां जावप अजुनय जातात[illegible] नाटकांतले मुखेल पात्र भाशण उलोंवक चुके जाल्यार [illegible] भुरग्या मनांक दिसताले कि आमी हाच्यरस कितलेश[illegible] सवंग करून दाखव आनी एक दिस म्हाका ख्यानीच स्टेजा[illegible] प्रसंग आयलो. नाटक पळोवंक जमलेल्या लोकक पळयना फु[illegible] फेफरे आयले. कमरासकयलो भागुच गळपण गेल्याभशन [illegible] त्या दिसापासून हांवे थारायले कि स्टेजिर चर हे म्हजे काम[illegible] कोणय फुडें सन्न काम करता ताची तोखणाय रप हें बरें [illegible] बरे जांव वायट धव्याचेर काळें करपी लोकांा तोखणाय [illegible] सोपो मार्ग.

बरोवपाक कितले वांटे perspiratin जाय आनी [illegible] वाटे inspiration जाय हे खंयचोच रपी सांगूक [illegible] जातलो. पुण आपल्याक बरोवपाक येता [illegible] एकादथाक [illegible] लागल्याबरोबर भुरग्याक जेन्ना दोन रोदां सायकल [illegible] शिकतकुच जाता तसो आनंद जाता. भुरपणांत कवित[illegible] काणयो बरोंवक चड कठीण जायना. गोंयचा वाठारांत [illegible] येरादारी खूब वाडल्या. तातूंन शिकपाक गानी शिंविमेक[illegible] चल्या आनी चलयांच्यो ओळखी खूब वाडल्या. खंयच्याय [illegible] बशीन वतना चलयेकडेन उलोवंक मेळ्ळें जाल्यार ताची[illegible] काणी, आनी जर ते वेश्टेंच मुमुखें हांसले, जा डोळें वर[illegible] पळयलें जाल्यार ताची जाली कविता. तुजे पिळगेचे [illegible] बरप्यांचेर मराठींतले फडके सारख्या देड दमच्या बरप्यांच[illegible] प्रभाव आसलेलो म्हण्टकूच त्या तेंपार ते शेच्यो काणयो[illegible] कवितांचे भरपूर पीक येतालें. (फडके हे जरी देड [illegible] बरपी आसले तरी ताच्या बरपाचेर डॉक्टरेट ळवन हिरण्यक[illegible] पिलावळ (!) पोसता ही एक मुद्द्म सांगसाकी गजाल).

असलें बरोवपाक भांडवल हें साधाण तुजे दोनाचे[illegible] हात जायमेरेन उपकरा पडटा. मागीरय तुचो बशींतलो चलूच आसता पुण तुमच्या वांगडच्या सीटार कॉलेज तरुणी म्हणूनूच सांगू नजा. आनी तातूं [illegible] बसलो जाल्यार आनं[illegible] ओळख काडपाचो आगावूपणा केल्यार तुका [illegible] भशेन म्हण्टा 'अंकल'. तुजें नाटक सुरू जाच्या आदींच [illegible] तुवें स्वताक कितलोय फटवचो यत्न केलो तरी तुजें पिळ[illegible] उकतें जाता. तूं जाण्टो जाला हे सांगपाक आतदशरय राजा[illegible] हारशांत पळोवपाची अजिबातूय गरज ना.

तरणाटशा चलयांचो विशय हे भशेन पल्याबरोबर दुसऱ्या काय घडणूकींचो विचार करचो पडटा [illegible] एका घडणूकिची याद जाता. एक दिस म्ह[illegible] कारवाराक भोंवडेक वचचो पडलो. येताना म्ह[illegible] एक बरो न्हेसलोलो मनीस येवन बसलो. [illegible] वळखुपाचे हासप कले. तश म्हाका बेठेच दिसले या अनो[illegible]

म्हाका वळखूप मनीस मेळटात. म्हूणून हांवं हासूनूच थांबलों हांग खंय तर ?' अशें अुलोवन ताका वळखल्ल्या बशेन :. आनी हांगा घात जालो. ताणे एक जी भरसंद सुरू केलो गांवा पावमेरेन ताणें म्हाका तोंड उघडपाची संद दिलीना. ांयच विचारीस्तना आपूण बिस्कीटेचो धंदो करतां आनी मटकोय खेळट आनी मटक्याच्या धंद्यान आपणे कशे लाख आनी त्या पैश्नी भयणीचे लग्न करून दिलें आनी बापायक इून दिवन कसंसुखांत दवल्ला हें सांगले. हाच्याय फुडें वचून । धंद्यातले बाकावे म्हाका सांगपाक सुरवात केली ताचें पुराण सोंपचे म्हणून हांवे ताका लग्न बी केलां मू म्हणून ऽ. त्या बरोबर ताका आनीक चेव चडलो. ताणे आपणें मोग ग्न कशें केलें नी मांवाची सगलीं लफडी म्हज्यामुकार करूंक लागलो हाचें तोंड कशें बंद करप हेंच म्हाका समजना डगांवा पावपाक अजून खूप वेळ आशिल्लो. ताजे तावडींतलो हांवें यत्न केल पुण जमलेना. मडगांवा पावमेरेन ताचे जाच सोसून घेवचे पडले. निमाणे एकदा बस मडगांवा पावत तसो म्हाका र हॉटेलार च्या घेंवक या म्हणून आग्रह करूंक पुण हांवें म्हाका वेळ जाता म्हूणून बस सारकी थांवच्या- उडी मारून रस्त वचूनं मिसळ्ळों.

सर्विसे निमत्त गोंयाभायर राविल्ल्यान बशींचो प्रवास णो जाला. नी या खातीर आता बरोवपाक दुसरे विशय पडटात. हाल्यान महत्वाचे म्हळ्यार दुसऱ्यांचों कुतां उणीदुणी म्हून काडून ताचेर बरोवप. पुण हातूंन एक भय आसता. ांयचो वाठार ल्हान आनी चडशे लोक एका- वळखतात. नाल्या फोणे जर अशें कोणाचे उणें काडल्लें चलें तर तरें बरयलां काय वायट बरयलां हें उरतलें , पुण अमक्या तमक्याचें बरें भायर काडला म्हणून पेरगांव वतलें आना गीच बसलेल्या जाग्यार मात जाच्या वर्मार ताची दुस्माकाय ओडून घेवपाचो भय म्हुणून शाण्या ह्या वाटेक गेल्लो बरें.

ातां उल्लें स्वताविशयीं बरोवप. दर एकल्याक जिणेंत ायऱ्या कड्यान, इश्टांकडल्यान बरे वायट अणभव येत . बरे अणभ हे विसरून वचपाचें आसतात. आनी तातूंत सांगपासारख कांय आसना. वायट अणभव मात खूप तेप रतात. पुण ब्बे साहित्यिक मोल कितलें हें सांगूक कठिण. तशे एक दोन बरे जल्मभर उगडास दवरपासारखे अणभव . पुण इश्काक आस्तना हावें ओलीव्हर गोल्डस्मिथ या इग्लिश लेखाक अशेच अणभव आयील्ले अशें वाचिल्लें तीन आसा हणून म्हाका हे अणभव तुमका कथन करचे ता.

हजी एक दिस जयपुराक बदली जाली. बदली म्हळ्यार नोकरांचेर मंसंकट आनी दुसरें म्हळ्यार हो वाठार ामको तल्यान एकूच आम्गेंचो खबर म्हळ्यार या

शहरांत एक तिपोलभाव वशिल्लो. ताचो हावें नामो मेळयलो आनी हांव एकदिस जयपुराक रूजू जालो. थंय पावन हांवे एका हॉटेलांत जागो घेतलो आनी दोन एक दिसांनी त्या तिपोलभावागेर वचून धडकलों. तागेर पावलों तेन्ना आमोरी जाल्ली आनी तो निकतोच येवन बशील्लो. म्हाका पळोवन तो खुप खोशी जालो आनी हांव हॉटेलार उतल्लां हें आयकनाफुडें खुब रागार जालो आनी म्हाका सामान घेवन येवक फर्मायले. ताचें घर खुब व्हडले आनी घरांत रावपी तो, ताची बायल आनी भुरगें अशीं तीनच लोक. ताचो आग्रो पळोवन हांवें थंयच थारायचें ठरयलें. तागेर रावन चारच दिस जातले. त्यादिसा हांव रातचो कामा- वयल्यान आयलों आनी सदच्या भशेन वाचूंक बसलों. इतल्यान ताची बायल भायर आयली आनी गजालिचे पोळे काडीत बसली. इतल्यान सादीसुबी जावन विचारुक लागली, ' तुमची हांगा बदली कितल्या दिसांक ?' हो प्रस्न म्हाका मात्सो खटकलो. पुण हावें खरी खबर सांगली ती आयकुन ती भीतर गेली आनी फाटोफाट तिपोलभाव भायर आयलो. ताच्ये तोंडाची नुरा म्हाका वेगळीच दिसली. हांव आता सारको शिटकावलों. आता ताचे बायलेन म्हाका कित्याक हो प्रस्न केल्लो हें म्हज्या लक्षांत आयलें. हो म्हाका आतां केन्ना वतलो अशें विचारतलो हे आयकुपाचे तयारेन रावलों. ताच्या दोळ्यांत म्हाका राग आयलोलो दिसतालो. ताणें म्हजेर नदर रोखली आनी रागान विचाल्लें, ' तुवें अजून दूसरो जागो पळोंवक ना ? म्हाका हो प्रश्न आयकून भिरभिर माल्लेली पुण हांवे म्हाका सावरून धल्लो. घड्याळात णव वरां जाल्ली. ताचें घर शाराभायर आसलें आनी हांव त्या शारात नवो आसलेल्यान म्हाका सकाळ जायमेरेन थंयच रात काडूक जाय आसलेली आनी तेच बरोबर ताका म्हाका धावडांवन दिवपाची संद दिवपाक तयार नासल्लो. म्हुणुन हांवे ताचो प्रश्न ताका हांशार व्हेलो आनी ताकाच म्हाका जागो सोदुंक मदत करूंक सांगले. असो कांय वेळ ताका हांवे जागेच्याच गजालोंनी घुस्पायलो आनी मागीर न्हीदपाचो वेळ जालो म्हुण आमी न्हीदूंक गेले. हांव न्हीदतालो थंयची फॅन ताणे काडून व्हेल्लो. हातरूणान म्हाका एकावाटेन कालोरान आनी एकावाटेन येवजून कशीच न्हीद पडना जाली. हावे सकाळी उजवाडल्या बरोबर तीं उठच्याआदींच घर सोडून वचपाचे थारावन हांव न्हीदलो तेवटेन म्हजो तिपालभावय हातरूणार तळमळटालो. घडये म्हाका कशें धांवडावप हें तो येवजीतालो जावये. ताची बायलांची बारीक आवाजातली कुजबुज म्हज्या कानार पडटली. सकाळीं हांव खूब वेगीन जागो जालों, कोणाक जाग येवच्या आदीं हांव न्हावन धुवन तयार जालो. आनी म्हजें सामान बांदूक लागलों. म्हजो तिपोलभाव आनी ताची बायल हीं म्हज्याभशेन सकाळीं उठलेली. हांव सामान बांदता तें पळोवन तीं एकामेकांक कुस्वो करी तें म्हज्या नदरेन सारकें बसलें. सकाळचें मन बरें जालें. येरादारी हळूहळू सुरू जाली आनी हांव कामाक वाम जावंक दिनास्तना रिक्शा हाडूंक भायर सरलों. म्हज्या तिपोलभावाक घडये दिसलें जावय कि हांव

र

आजूय भायर सरता. अदर्या वाटेक म्हाका रिक्शा मेळ्ळी ती घेवन आयलो आनी दारामुखार थांबयली. ताकतिकेन वचून हांवें म्हजे सामान रिक्शान भल्लें आनी वचच्यापयलीं सांगूक म्हुणून रांदचे कुडीत तिपोलभाव आनी ताची बायल बसलेली तांच्या मुकार उबो रावलों. बरोबर हांवे येवजिल्लें तशेंच घडत वतालें. हांव आयजूय वचूंक ना हे समजून ताणे काळजाचो ठाव सोडलेलो. तोंडा तर तांची इतली पडलेली कि कोण तरी तांच्या घरात मेला असो समज जावचो. हांवे जेन्नां तांचो येता म्हुणून निरोप घेतलो तेन्ना ती इतली घुसपून गेली कि तांच्या तोंडामुकारचो च्याचो पेलो म्हाका घे म्हुणून दिवपाक लागलो. म्हजें काम जाल्ले आनी थंय खीणभर थांबनास्तना हॉटेलाचो रस्तो धल्लो. इतले करतकच मागीर हांव जीवावयल्या अरिष्टांतल्यान सुटील्ल्याभशेन घामाघूम जाल्लो.

अशेंच भशेंचो पुण मात्सो वेगळो अणभव म्हाका नागपूराक आयली थंय पावलो तेन्ना म्हज्या बोल्सांत फक्त शंबर रूपया उल्लेले आनी पगार मेळपाक खुब दिस आसल्ले. हॉटेलांत एक दोन दिस रावन कोणूय ओळखीचो मनीस सोदपाक लागलों. All India Radio चो डायरेक्टर गोंयसुन बदलून गेल्लो हें म्हाका खबर आसल्ले. ताका हाव मेळळों. ताका म्हजी अडचण सांगली. ताणे रोकडोच थंय देशपांडे म्हुणून एक अधिकारी काम करतालो ताचे रूमात म्हजी रावपाची व्यवस्था केली. हांव खोशी जालो. हांव सामान घेवन देशपांडेच्या बिराडाक गेलों. ताचो रूम किते पळयतलो ! गोंया आसता ते डुकरांचे घुड हाच्या-परस कितलोशेंच बरे. पुण हांव सामकोच अकलेक आयील्लों. रातचो न्हीदताना देशपांडेन हळूच भाडयाचो विषय काडलो. ती आसलेली म्हयन्याची चोवीस तारीख. हांवे कौंत केलें आनी म्हळें, 'सात दिसांचे अर्दें भाडें मूं ?' ते आयकुन देशपांडे उसळून म्हणूंक लागलो कि सात दिसांचे बी काय ना, पंदरा दिसांचे भाडे आनी तेंय बी दोगायचेंय हांवे एकल्यान दिवचें पडटलें हे आयकुन हांव सामकोच भिरांकूल जालों. इतले पैशे खंयच्यान हाडटलो ह्या येवजणेंत पडलों फुडें कशे जातलें ह्या येवजणेंत हांव न्हीदलों. हांव सकाळीफुडें जागो जालों. म्हज्या आदींच देशपांडे जागो जाल्लो. रगत गोठेवन वता इतली कडक थंडी पडलेली. ते कडक थंडेन हांवे देवाचे नांव घेत थंड उदक न्हावन घेतलें. म्हज्या आदीं देशपांडे न्हावन गेल्लो आनी हांव भीतर गेलों तेन्ना तो कितेंतरी खातालो. म्हाका पळयनाफुडें देशपांडेक तें लिपोवपाक जमना जालें आनी वयलेचाराक एका बशेंत मेजून तो खाताल्या त्या लाडवाच्यो चार गुळयो म्हज्याफुडें दवल्ल्यो. म्हाका खावपाची इल्लीय इच्छा नासली, पुण ताणे म्हाका खुब आग्रो केलो आनी म्हळे, 'अहो, हे डिंकाचे लाडू आहेत आणि माझ्या बायकोने मुद्दाम पाठविलेले आहेत. सर्दीच्या दिवसात हे आरोग्याला फार चांगले आहेत.' आनी म्हाका खोशी नासतना चार गुळयो हांवें तोंडान घाल्यो आनी कपडे घालून भायर सल्लों. म्हज्या पयलींच देशपांडे तयार जाल्लो. म्हज्या बरोबर देशपांडे भायर सल्लो आनी लचांड कसो म्हज्या फाटल्यान लागलो. हांवें आदल्या रातीं जेवण घेवंक नासलें म्हुणून म्हाका कडक लागलेली. निमाणें एका हॉटेलांत म्हज्या फाटल्यान देशपां सल्लो. म्हज्यावांगडा ताकाय खावपाक मागोवचें पडलें. बिल बरोबर देशपांडेन बिल हळूच म्हज्यामुकार सरकयलें अ हळूच भायर सल्लो आनी म्हाका बोल्सात चड पैशे तें भरचें पडलें. म्हाका लाडवांच्यो चार बोयो दिल्ल्य गळयांत बांदलोल्यो ताची किंमत देशपांडेन वसूल केली. रुम सोडचो थारायलो. देशपांडे बरोबर रावप हें परवडप हें हावे वळखिल्लें. त्या दिसा आयतार आसलेलो. हांव रुमार परत आयलों. देशपांडे म्हज्यापयलीं थंय आयिल्ल ताच्यावांगडा ताचो एक इष्टूय आसलेलो. कांय वेळान सकाळचो लाडवाची डबो उकतो केलो आनी मेजून च काडून इष्टाच्या हातार दवल्लो आनी म्हजेकडेन वळून लागलो, 'अहो हे डिंकाचे लाडू, तुम्हांला सकाळी बि म्हाका दिसलें हो म्हाकाय दिवपाक सोदता. पुण हांवे स प्रसंगाची याद दवरुन कशेंच ते लाडू घेवचो न्हय अशे रातचो न्हिदतास्ताना ताणें परत भाडयाची खबर काडा ताका फाल्यां पळोवया म्हणून वेळ मारुन व्हेली. दुस सोमार. हांव आनी देशपांडे रुम बंद करून आमी दोगुय काम भायर सल्ले. हांव देशपांडेक काय पत्तो लांवक दिनास्तना ए शें हॉटेल सोदून काडले आनी थंय व्हरून म्हजें सामान दवल चावी घेवन देशपांडेक दिवपाक रेडिओर गेलों. म्हाका मन जाल्लो कि देशपांडेन पंदरा दिसाचे भाडें सोदले जाल्या दिवचे ? हांवे बुद्ध वापल्ली आनी डायरेक्टराकडेन वचून खबर सांगली. कांय वेळान देशपांडे डायरेक्टराकडेन आयल संद धरली आनी चावी ताचेकडेन दिली आनी दोन दिसां कितले कांय म्हणून विचाल्ले. डायरेक्टरामुकार म्हजेक दिसांचे भाडे कशें मागतलो म्हूणून ताणे आसूं आसूं म्हळ तेंच सोदतालो. मनातल्या मनांत हांवे ताका नमस्कार घाल थंयचो भायर सल्लो.

हे सगळें तुमकां सांगतास्तना म्हज्या मनांत एक विच कि ह्या म्हज्या बरपात किते अर्थ आसा ? ह्यो वोरवीं आम केक शिकयणारो दास नावाचो प्रोफेसोर सांगतालो त्या याद जाता एका गवयान एक कविता रचली आनी इश्टाक यली ताणें ती वाचली आनी म्हळे 'अरे हातून अर्थ खय 'अर्थ ! अर्थ हांव तातून मागीर घालतलों जर कोणाय म्हज्या ह्या बरपांन अर्थ ना अशें दिसत जल्यार तर ताणें मुद्दम कळोवंचे, मागीर हांव तातून अर्थ घालून दिता

खंत

— नारायण बोरकार

गांवाभायर पँस दाट झाडी आशिल्ली. दाट झाडींत दोन
शिल्ले. दोनूय वड एकेच कडेन तेकून आशिल्ले. एकूच वड
न. एक वड काळो आनी एक वड धवो आशिल्लो. काळ्या
खांदयेर एक कावळ्याचो घोंटेर आशिल्लो. तांतून कावळो
वळी रावता. वारो आयलो कीं वडाचीं पानां खळखळून
तीं. वाऱ्या बरोबर पानां नाचतालीं. दोनूय वडाचीं पानां
हालतना पळोवन कावळ्याकूय उमेद जाताली. केन्ना केन्ना
वडाक फळां जातालीं. दोनांकूय एका बरोबर केन्नाच जाय
तीं. धव्याक जेन्ना फळां जातालीं तेन्ना काळ्याक वायट दिस
आनी काळ्याक फळां जातालीं तेन्ना धव्याक केन्ना वायट
शिल्लें. धव्याक जेन्ना फळां जातालीं तेन्ना ताजेर लागीं
चे सगळे कोगूळ येवन भरताले. ते कोगूळ फळां खाताले
हू कुहू करून गाताले. तेंगशेचेर हेवटन तेवटेन नाचताले.
च दिस कोगूळ धव्या वडाचेर रावताले. काळ्या वडाक
फळां जातालीं तेन्ना एक लेगीत कोगूळ फळ खावपाक
लो. पुण ताजें काळ्या वडाक केन्नाच वायट दिस नाशिल्लें.
आनी कावळेक वडांचीं तोखणाय दिसताली. चड करून
वडाच्या स्वभावाचें तांका अजापूच जातालें. कावळ्याक
काळ्या गळ्याच्या कावळ्याच्या कसो लागींच रावना, ताजो
आपल्याच्यान कसो आयकूं नज, आपुण ताज्याकडे कितल्या
ान वागतां अशे एक ना दोन कितलेशेय विचार ताज्या
यताले आनी ताजी स्वतःचीय ताका लज आनी तिडकूय
. कावळीणीकडे असलें किदेंय कावळो उलयलो कीं कावळीण
समजायताली. ' वड तो वड. तांचो स्वभाव आमचो जाता ?
तांचो स्वभाव कसो यतलो ? पळे, पुण थोडें तरी
तांच्या स्वभावांतलें घेतलां कांय ना ? कितलीं कोगुळां
तांतयां आमच्या घोंटेरांत घालतात. आमी
किदेंय म्हणतां ? आमी व्हड करीना तांचीं पिलां ? '
कांय उलयनाशिल्लो. कावळ्याक आपलो स्वभाव
शिल्ला. पुण तो कांय करूंक शकनाशिल्लो. फक्त ताका
कच वायट दिसतालें. ताजी ताकाच खंत जाताली. फांतोडेर
आनी कावळी दोगांय घोंटेरांतल्यान उडून गांवांत वचत
तिनसांजची काळोख पडपाक घोंटेरांत परतीं येतालीं. दोनूय
गीर कावळ्याकडे गांवची खबर घेताले. आनी कावळो
दच्यो गांवांत घडलेल्यो घडणूको मीठ मिरसांग लावन
लो. कावळीय भीतर फण्णां घालताली. न्हीद य म्हणसर
कावळो तांका गजाली सांगीत बसतालो. आनी सांगतां सांगतांच
न्हिदतालो. आज असोच कावळो आनी कावळी* गांवच्या देवळाकडे
वचून आयल्लीं. थंय जात्रा आशिल्ली.

' कावळ्या किदें खबर आज गांवांत ? ' धव्या वडान
विचारलें.

' खबर, किदें विचारता, आज सगळी मजाच मजा. दिसा
परस रातची चड मजा आसा. पुण आमका खंय तोळता न्हीद ?
हेवटेन काळोख जाता आनी तेवटेन आमचे दोळे ओडतात. खरी
मजा रातचीच आसा. '

' जांव रे, पुण दिसाचें तुवें किदें पळेलां आनी आयकलां तें
तरी सांग मरे आमकां. ' काळ्या वडान म्हळें.

' मेळत तो देवळाकडेंच वता म्हुण आमीय देवळाकडेन गेलीं.
किदें लोक भरला रे बाबा थंय आज, रातचें आनी किदें जातलें
कोण जाणां. रस्त्याच्या दोनूच वोटेन आनी मळभर तरेक तरेचे
माण, दुकांनां पडल्यांत. मदीं मदीं हॉटेलां पडल्यांत. हॉटेलांत तर
जिन्नस केल्या ते पळोवन म्हज्या तोंणाक उदक सुटले. '

' हे हॉटेलांत भितर वचपाक करीत, हांवें फाटल्यान ओडले.
मार आनी पडत जाल्यार ! ' कावळी उलयली.

' ओगी राव. मदीं किदेंय उलोंवनाका, पचक करून. सगळ्यांनीं
रंगी बेरंगी तेरक तरेचे ड्रेस घाल्या. '

' रंगी बेरंगी । ' दोनूय वडांनीं अजापान विचारलें.

' हय तर किदें पळेतलो ! कोण जादुगार आयला तो खंय
तरेक तरेचे जादू करता. पुण ते बंद घरांत. आमकां पळोवंक मेळ्ळेना.
भायर एक डोंबाऱ्याची सर्कस पडल्या तांतून एक बायल दांडो
हातांत घेवन दोरये वयच्यान चलता. सकयल बरें म्युजिक चालू
आसा आनी एक भुरगो ढोलकें वाजयता. एकेकडे एक व्हडले उभें
चक्र धुंवता त्या चक्राक मदीं मदीं सारक्या अंतरान पाळणी
बांदल्यांत. त्या पाळण्यांनी भुरगी बसल्यांत. तशे उमेदी थोडे जांटेय
बसल्यात. पाळण्यांत बसलेलीं हीं भुरगी आनी जाण्टे चक्र धुंवता तशें
वयर सकयल धुंवत आसात. थंय लागींच एक वड आसा.

' वड ? अजापान वडांनीं विचारलें ' तो थंय किदें करता ?'

' किदें करता ? तो तर एक देव. वडा पुनवेक त्याच वडाच्यो
खांदयो पुजपाक लेक घरा व्हरतात. वडात खंय दैवी शक्ति आसा.
ताजे सकयल होमखंड पेटयतात थंय लाकडां दाळिल्लीं आसात. '

' होमखंड, होमखंड म्हळ्यार किदें आनी लाकडांशी रे थंय
दाळ्ळ्यां ?' दोनूय वडांनीं अजापान विचारलें.

' होमखंड म्हळ्यार पवित्र उजो. थंय लाकडां जीं दाळ्ळ्यां
तांका संबंध रात फांतोड जाय मेरेन लोक प्रदक्षणा घालतात.
म्हळ्यार लाकडाभोंवतणी भोंवतात तोंडान खंय देवाचें व्हडल्या
व्हडल्यान नांव घेतात आनी फांतोडेर खंय थंय कोणतरी देवाची
चुड हाडून लाकडां पेटयतात. लाकडां पेटून कोळशे जाले कीं पेटल्या
कोळशां वयल्यान खंय कांय लोक चलून वतात अजाप न्ही ! ताजेय
परस अजाप किदें जाणात त्या वडा मुळान तो उजो पेटटा पुण ताजे
खंय एकूय पान बावना ' हें आयकतना वड उमेदिर दिसलेना. तर

तो सांगीत रावलो ' देऊळ आसात पळयात ताजे फुडें एक खांबो आशिल्लो दिवे पेटवपाचो तो हाली म्होडूंक आयल्लो. खूब वर्सां जालीं जातलीं ताका. अंदू तो नवो बांदला. तो देवाच्या एका मोठ्ठ्या पैशेवाल्या भक्तान स्वंय आपल्या खर्चान बांदला ' हे सांगतना कावळ्याच्या तकलेंत किदें तरी दुसरो विचार आयलो पुण ताणें तें फाल्यां करचे, अशें थारावन तो विचार सोडून दिलो. थंय फुलकार फुलां, हार बी घेवन देवळाभायर बसल्यात. तांचे कोंत ना दंपरा देवळाच्या अग्रसाळींत जेवणावळी चलताल्यो. पंक्तिर पंक्ती लोक जेवतात तशे जेवतात दंपार पासून ते सांज मेरेन लोक जेवीत आशिल्ले. आयकांय चान्स पडलो सगळो घसघस. बरें न्हीद आयली न्हीदतां हां ' अशें म्हणून कावळ्यान न्हिदून सोडले, कावळी पयलीच न्हिदलेली.

फांतोडेर कावळो उठलो. कावळी पयलींच उठलेली. कावळो वचपाक तयार जाली, कावळ्यान तिका थोडो वेळ रावपाक सांगलें. आपुण सकयल आयलो. वडांच्या पेडा भोंवतणी पेडाक पळेत सकयल्यान भोंवलो. मागीर पेडार आयलो. पेडाक भोंवताडो मारूंक लागलो.

' काळ्या, हो आतां आमकां देव करता काय किदें ?' धवो.

' कित्याक, तो भोंवताडो मारता म्हणून ?'–काळ्यान म्हळें.

' हय, प्रदक्षिणा काडता सो दिसता. ' -धवो.

' भायर सरचेपैलीं आयच्यान ताणें हो नेम केला काय किदें ?' –काळो.

' मदींच तो रावलो मरे. बारीक सो कित्याक पळेता.' –धवो.

' तशें जाल्यार आयक सांगतां तुका. ताका आतां कुर्वीजदाद जाल्या हें पेड कोणें बांदलें कांय म्हूण. आनी त्याखातीर तो पेडार पाटी सोदता. ' –काळो.

' कळटलें सांजे, तो गांवांतल्यान परतो येतकच ' कावळो घोंटेरान आयलो आनी कावळो आनी कावळी दोगांय उडत गांवांत गेलीं.

' कावळो पुण हुशार न्हय ? ताका सगळी बारीकसाण आसा. ' धवो.

' हय तर, हुशारच तो. पळे तूं आतां. हो थंय त्या जात्रेक वता आनी जात्रेचें सगळें पळोवन समजन घेता. ताज्या नजरेंतलें किदेंय चुकलां जाल्यार पळे. लोकांचे कपडे, ते होमखंड आनी दिव्याचो खांबो मेरेन. नाजाल्यार आपलें पोट भरलें, पुरो आपल्याक बाकीचें किदें लागता ? ना, हाका सगळेंच लागता. '

' पळेता बरो वाकडो तकली करून एकाय दोळ्यान कसो. '

' बरें तूं म्हाका सांग, हांगा ह्या रानांत आनी दुसरो कोणूच कावळो रावना. यदो व्हडली गांव आसा थंय आनीक झाडां ना ? बाकीचे कावळे रानांतूच रावता जातले. मागीर हांव इतले पैस हांगा कित्याक रावता ?'

' घडये ताका दिसाच्या गांवच्या गजबजाटाचो कंटाळो यता जायत आनी रातचो थंडसो गांवापासून पैस रावपाक हांगा यता जायत.'

' म्हाका दिसता खूब वर्सां जाल्यान आमकां ताजेविशीं जसो मोग जाला तसो ताकाय आमचेविशीं जाला जायत.'

सांज जाली. कावळो, कावळी दोगांय घोंटेरा[illegible] आयलीं. दोगांय खोशी आशिल्लीं. दोगांय गुजूगुजू करू[illegible] करपाक लागलीं.

' ये कावळ्या, बरो हळू सो उलयता मरे. कसल्यो [illegible] प्रायवेट, आमी आयकूक जायना ?'– काळो वड.

' च्ये, च्ये. तशें आमचें प्रायवेट कांय नासता.'

' मागीर हळू घो, कानांत फुतफुतलेले, बशेन [illegible] उलयतात ?'

' तशें न्हय रे काळ्या ही विचारता हांव आज[illegible] सकयल देंवन किदें पळेतालो कांय म्हूण.'

' मागीर आमकांय सांग मरे.'

' आरे हांव पळेतालो तुमचें पेड ह्या रानांत हें पे[illegible] कोणें आनी कित्याक ? हांवे भोंवन भोंवन पळेलें पुण ख[illegible] ना. तुका खबर आसा कोणें बांदलें तें ?

' म्हज्यातरी जाणापरी हें पेड बांधूक ना. धा[illegible] बरोबरचोच आसतोलो. ताकाय खबर आसतशी दिसना.

' किदें, पेड कोणें बांदलें कांय म्हण्टा ? ना रे बाबा[illegible] कांयच खबर ना. भुरगेपणापासून, म्हळ्यार म्हाका स[illegible] हांव हें पेड पळेतां पुण ह्या पेडाक केन्नां कोण प[illegible] आयले ना आनी दिवो दवरपाचे कुर्कुट आसा तां[illegible] दिवोय लायलो ना.'

' मागीर हें पेट बांदलें कित्याक ?'– कावळो

' कित्याक तेंच कळना.'– धवो

' तशें जाल्यार म्हाका दिसता हें राखण्यांनी [illegible] बांदलां जातलें. राखण्यांक पेडां बांधपाचीं, आपुण ग[illegible] चरयता थंय देव पुजपाची संवंय आसता.'

' तू म्हणता तें कावळ्या खरें पुण राखणे पेडां[illegible] बांधीनात ते बांधतात पळे तीं गुंड्याचींच आसतात आ[illegible] व्हडलीं आसनात. '

' म्हाका दिसता हें पेड धा जाणांनीं बांधलां जातलें.[illegible]

' कावळ्यान विचार केल्ले बशेन केलें आनी उलय[illegible] ना. धा जाणांनीं तें बांधूक ना. धा जाणांनीं हें बांधलेलें[illegible] कोण तरी केन्ना तरी पायां पडूंक यतलो आशिल्लो. कोण[illegible] पुजा करतोलो आशिल्लो. हें कोणेंतरी केन्ना आपल्याख[illegible] ल्यानूच बांधला जातलें. आनी तें एकट्यानूच बांधलां [illegible] दुसरो कोणूच हांगा यना आनी ज्यांणी बांधलां तां[illegible] नातरां, पंटुरां आसा, तांका ह्या जाग्यार येवपाक भंय [illegible]

' वा, वा कावळी तो कावळो. हेच खरें. कावळ्या[illegible] तेंच खरें ' काळ्या वडान कावळ्याचो तोखणाय केली.

' कावळ्या, तू म्हणता तेंच खरें. सगलें जाग्याचेर [illegible] तुवें गांवाची खबर सांगली. गांवच्या वडाच्यो खांदयो [illegible] पुनवेक पुजतात. आमच्यो खांदयो व्हरपाक कोण यत[illegible] यतलो कित्याक ? हो जागो एकट्यान येवपाचो ? [illegible] रंगीबेरंगी कपडे घाल्ल्या, मनशांचीं, नांचपीं, खेळपी भुरग[illegible] सांगलें. आमकां कितलें आयकूंक बरें दिसलें जाणातु? धन[illegible] तें पळोंक मेळ्ळे. आमीय हांगा मनीस पळेतां केन्ना बे[illegible]

खबर आसा ? ना. तूं सकाळ जाली की, गांवांत वता
वो गाढ न्हिदता. तुका कांयच खबर नासता ह्या पेडास-
ावे वटेन एक बारीक पाय वाट गेल्या. ती खंय वता ती
नकळ. ती पाय वाट वता सोंसूटेंन आमी पळतां ते
शे वाले न्हेसलेले आनी वालेच पांघूरलेले पोन्नेशे. केन्नां
हळू उलयतात, केन्नां केन्नां उलयनात. चडशे दिसाचे
न्नां केन्नां रातचेय वतात, केन्नां केन्नां पांच स जाण तर
शें शंभर. चौघांच्या खांदार आसता प्रेत आनी आयकूंक
ड. तुवें काल आमकां होमखंड दाळ्ळा तें सांगले तेन्नां तुवें
पळेलें ? '
य, तुमी म्हाका दुःखी दिसले. ' –कावळो.
य, ताजें कारण तसलें होमखंड पळोवपाचें आमच्या
ना. आमकां वयरसून दिसता तीं पेटलेली
मकां दिस्ता तो फक्त उजो. गांवच्या वडाक दिसता ते
न वचपी जिवे मनीस. आनी घरा जात्रा करून परते
दी लोक. आमकां हांगा दिसता ते उज्यांत वचपी सोप-
स केन्नांय परतो न येवगाक आनी उजो पेटतकच घरा
लेल्या रडकुळच्या सुतकी तोंडाचे लोक. आमच्या नशिबान
पाचे कांय ना रे कावळ्या.' धव्या वडान खंत परगटायली.
वळ्यान दोळे पुसले. आनी म्हळें, ' यतले, तुमकांय बरे
. '
वळ्याक आपल्या स्वार्थी स्वभावाची तिडक मारली.
ीं आपुण वडार रावन ह्या गोष्टीची आपणाक खबर
सूं नये ताजें ताका वायट दिसलें. तशो ताणें गावांतल्यान
यात्रा पळेल्ल्यो, पुण त्यो खंय वतात हें पळोवपाचें वा
पाचो ताका केन्नांय इंतेरेस जालोना. ह्या पिकासांवान
हदलो.
कांय दिस गेले. एक दिस कावळ्याक गांवांत खंयतरी
फातरामळार एक मोठी फॅक्टरी पडटा म्हूण. फातरामळ
ळ्या वडांक सामखें लागीं. ही खबर आपूण केन्नां काय
ाक सांगची अशें कावळ्याक जालें. सांजे घोंटेरार
रोबर कावळ्यान धव्या वडाक उलो केलो.
व्या वडा, '
दें रे आयलो घरा ?' धवो वड.
, आतांच. आज एक बरी खबर आसा. '
सली रे ? सांग मरे तरी बेगीन. '
मच्या ह्या फातरामळार एक फॅक्टरी पडटा खंय. '
रें, देवाच्यान ?
व फटयतां ? हांव आज आमच्या सदच्या बेकरीवाल्यागेर
बेकरीवालो उलयतालो. '
व बाबा आज कीं तुवे बरी उमेदीची खबर म्हाका
मकां पळोंवक मेयळ्यार पुरो. बेगीनशी जाल्यार पुरो. '
दिस गेलें. फॅक्टरी जावपाची कांय जाग नाशिल्ली.
ांतल्यान आयलो कीं धवो बड ताका सदां फॅक्टरीविशीं
वळो बाबडो किदें सांगतोलो. जातली, जातली अशें म्हणून

दिस पासार करी. सांजे कावळो घोंटेरात यत जाल्यार ताकां धव्य' वडाचो एक व्हडलो खांदो बावल्लो दिसलो. ताणें काळ्या वडाक विचारले काळो वड म्हणूक लागलो धव्या वडाचें आरोग्य बरें ना अशें धवो वड म्हण.

' धव्या वडा ? ' कावळ्यान उलो मारलो.

' ओ ' हांसत हांसत धव्या वटान जाप दिली.

' जिवाक बरें दिसना ?'

' ना मरे सकाळच्यान बरें दिसना. पळोवया सुधारता जाल्यार. फॅक्टरीचे खंय पावला ?'

' जातली आतां लागीं आसा सर्वेयरबी पळोवन गेल्यात '

कावळो सद्दां गावांत वतालो आनी सांचो यतालो इल्ली इल्ली करून धव्या वडाची चडचड पानां बांवक लागलेली. एक दिस तर एक खांदोच मोडून पडलो कावळ्यान धव्या वडाक विचारलें, ' धव्या वडा तूं चड बरो ना कांय किदें रे ?' खांदो मरो म्होडलो तुजो ?'

' च्ये तशे कांय जांवक ना रे कावळ्या बरो आसा हांव. तशें किदें तरण्या तरण्या झाडांचे व्हडले व्हडले खांदे म्होडुन पडना ? तशें कांय ना. बरो आसा हांव आं. '

कावळो ताजी न चुकतां सद्दा खबर घेतालो. एक दिस सकाळींच कावळो बेकरीत गेल्लो थंय ताका कळ्ळें कीं गांवांत ट्रकाचे ट्रक सामान आयलां फॅक्टरी उभारपाक. कावळो आनी आनी रावलोना कावळो आनी कावळी सकाळीच घोंटेरात येवपाक परतलीं. कावळ्याक धव्या वडाक केन्नां कांय ही खबर दीन अशी जाल्ली. पेडाकडे पावचे पयलीं पयसूनच्च ताका धवो वड मुळाकसून सुकून म्होडून पडलेलो दिसलो. कावळो आनी कावळी लागीं आयलीं. पडतना ताणें काळ्या वडाची एक लेगीत खांदी म्होंडूक नाशिल्ली. घोंटेर आशिल्लो तसो आशिल्लो. कावळ्याच्या दोळ्यातल्यान दुकां व्हांवलीं. कावळी रडली.

कावळ्यान रडत रडत काळ्या वडाक म्हळें, ' काळ्या वडा, हांव आज मुद्दम धव्या वडाक खबर दिवपाक सकाळींच परतो आयल्लों. फॅक्टरीचें सामान बाजारान पावलां. आतां फॅक्टरी जातली.'

' पडूं पाड त्या फॅक्टरीक आतां. आतां कित्याक ती ? जांव नाजाल्यार न जांव. धवो आमचो गेलो.' काळ्यान रडत रडत म्हळें.

दुसरे दीस कावळो आपल्या घोंटेराच्यो काटचो सोडोवंक लागलो. काळ्या वडान रडत विचारल्लें, ' किदें करता तूं कावळ्या? '

' आतां म्हाका हांगा रावन दिसना रे काळ्या वडा, धवो गेलो. म्हज्यान दुःख सोसू नज. खंयतरी दुसरेकडे वता हांव.'

' म्हणजे आतां हांव एकटोच सोसूं मरे दुःख हे ? एकटोच राव मरे हांगा ; वर्सांची वर्सां धवो, हांव आनी तुमी एकेकडेन रावलीं. धवो गेलोच आतां म्हाका कोण आसा ? फक्त तुमीच.'

कावळ्यान सोडलेल्यो बडयो परत बांदल्यो आनी ताणें बडाक म्हळें, ' ना. आमी तुका सोडून खंयच वचचीं ना.'



मोन्यांनी होडी चलवंक लागलो. पुण वेगळया तरेन, आतांमेरेन ताज्या हातांतलें व्हलें फुडल्यान फाटी वतालें पुण आतां तें वांकडें तिकडें वचूंक लागलें. वाऱ्याचीय ताका मदत मेळळी. आनी होडी अकस्मात दावे वटेन बावगली. आनी विद्वत्तेच्या धुंदींत पातळावन बशिल्लो तो विद्वान मनीस लकलो आनी सोमतोच उदकांत घो जालो. ताज्या नाकातोंडांत उदक वचून तो घुसमटूंक लागलो.

ताजी अशी आवतिकाय पळोवन तारी पोटभर हांसलो आनी ताणें त्या पंडिताक विचारलें – ' तुका पेवंक येता ?'

' ना रे सायबा ' बडुक बुडक करीत आनी न्हंयेचें खार उदक पीत त्या विद्वानान कशें बशें म्हळें.

' तशें जाल्यार तुजो जल्म सामकोच फुकट !' तूं खूब शिकलो. महाभारत वाचलें, रामायण वाचलें. इतिहास वाचलो, पुण पेवंक शिकलो ना. ताजो परिणाम भोग आतां. हें सगळें शिकचे पयलीं पेंवक शिकिल्लो जाल्यार तुजेर अशो प्रसंग येवपाचोच नासलो. खा आतां ! पी उदक पोटभर !'

इतले मेरेन तो पंडित मनीस जाम जाल्लो. उदक पोटांत वचून वचून सामको खासावीस जाल्ले. तरी जाता नजो करुन हात जोडून ताणे म्हळे, ' सायबा, विशयांत तरी तूं म्हजे परस चड विद्वान. विद्वानच तर तूं सामको देव ! उपकार करून म्हाका वांचय. उपकार जलमोजलमीं विसरचो ना.'

त्याबराबर तारयान होडी पंडिताच्या म व्हरुन ताज्या हाताक धरून ताका वयर काडलो. ता होडी व्हलवक सुरु केलें. पंडित बाबडो भिजिल्ल्या कुडकुडटालो. न्हंये वेलो थंड वारो ताका आतां अ थंड लागूंक लागल्लो.

काठार पावतगीर पंडितान तारयाचे उपकार ताका म्हळें, ' आज म्हाका कळळें कसलोय वेवसाय उणाक नासता. तुवें जर म्हाका आज वांचयलो न तर म्हजी सगलीं पुस्तकांतलो विद्वत्ता उदकांत असली. बरें, देव बरें करू तुजें तुवें म्हाका खरी वि दखयल्ले खातीर !'

विद्वत्तेचो, शिकपाचो कोणेय बेश्टो अभिमान नये, दुसऱ्याक हीण लेखूं नये. जण एकलो आ कामांत व्हड आसता हें मतीत दवरूंक जाय.

(क्र